कोंकणी निरंतरी...

# पयणारी

आशावादी प्रकाशनाची डिजिटल कोंकणी साहित्यिक पत्रिका

● अंक: ५ ● म्हयनो: जानेर ● वरस: २०२१ ● मोल: रू. ५०

**मास्क शिकप आनी योग्यता**
(वल्ली क्वाड्रस)

**दायज थावन पयणारी: डिजिटल जागतीक रूपांतर** (एच्चेम)

**विलफी रेबिंबस स्मारक साहित्यिक सर्त २०२१**
पयलें इनाम: नयना अडारकर, महदेव गांवकर

**दे|फ्रेड्रीक क्वाड्रस स्मारक डिजिटल पुरस्कार**
क्रिसटोफर नीनासम

**वाल्मीकी, नालिसाय, करम**
(इनामां जोडलेल्यो कथा)

**लिपियंतर वावराची गरज**
(लारेन्स वी. बारबोज)

**कथापाठ**
(डिजिटल वेबिनारांची ओळोक)

**आशावादी प्रकाशनाचीं २० वरसां**
(आंड्र्यू एल. डी'कुन्हा)

**SKA संघटनाचो कोंकणी वावर**
(लारेन्स वी. बारबोज)

**पयणारी वर्साचो कवी २०२० पुरसकार**
नीलबा खांडेकर

**अंतरराश्ट्रीय कोंकणी चिन्ह पुरसकार**
एस.के.ए. लंडन

**वरांचें पुस्तक** (मिगेल तोर्गा)
**तर्जण कविता** (शैलेंद्र मेहता)

**आशावादी २०२०**
सविसतार वर्दी

**कथा, कविता, लेखनां**

आशावादी प्रकाशन
यदाहं जीवमि, अहमाशंसे

वल्ली क्वाड्रस
(मुकेल संपादक)
शैलेंद्र मेहता
(सह-संपादक, नागरी)
मा। जेसन पिंटो
(सह-संपादक, रोमी)


वीज कोंकणी
डा।आसटीन प्रभुच्या संपादकपणाखाल चिकागो थावन येवचें ई-पत्र

## संपादकीय: मास्क, शिकप आनी योग्यता



रानांनी रूख -रानवटी जीवां मदीं एका तेंपाआदीं जियेवन आशील्लो मनीस आपल्या सुखा -सवलतेक लागून रुखांक कातरून, जनावरांक मारून आपलें कुटुंब करून जियेवंक लागलो आनी हे प्रक्रियेक 'सभ्यताय (civilization)' अशें लेखून जियेलो. मनीस संगजीवी; कोणूय एकसुरो जियेवंक शकना देखुन आपूण, आपलें कुटुंब, आपलीं-पेलीं, शेजार, समाज, गांव रचून दीस गेले तसो रानाक विसरून गेलो. फातराचीं आयुधां वापरुन जियेंवपी मनीस यंत्रांचे अविश्कार करून दोंगर, गांव खिणान धुस्पटंवचीं आयुधां एकटावंक लागलो. उपरांत उदेल्यो वंटीं आनी तांकां राखूंक वंय, दोरयो तशेंच राखणदार . आनी इतिहासाचीं पानां उस्तील्यार आमकां थोड्याच उतरांनी वाचुंक, पळवंक, समजुंक मेळटा इतलेंच. भाव भावासवें, शेजार शेजारासवें, गांव गांवासवें, राज्य राज्यासवें, राश्ट्र राश्ट्रासवें झुजता वा शाणेपणाचो कोयतो पाजता तें असल्या वंटींक लागून. पूण रानांनी जियेवपी जीवांक जांव, स्वतंत्र मळबांत हुबतल्या सुकण्यांक जांव कसल्याच वंटींचीं बंधनां ना . 'नागरीक' मनशान मात जेन्ना प्रकृतीक पयस करून आपलो कृत्रीम (artificial) संसार रचता तेन्ना आपुणूच आपणाकच बंदी करून जियेता.

ह्या संसारान ह्या आदीं अरिश्टां पळवंक नात अशें ना. अरिश्टां , विघ्नां, म्हाझूज, दुकळ, हुंवार, म्हापीडा कीतलेच फावट आयल्यांत आनी मनीस अजून 'आपूण बळवंत, आपूण,बुदवंत, आपूण सुरक्षित, आपूण शाश्वत' ह्या भ्रमांत अजून जियेवन आसा. आनी मनशाक ह्या भ्रमांतलो भायर हाडुंक २०२० वर्सान यत्न केला, वेळाकाळान धतरेच्या सुवार्थाखातीर यत्न केल्लेपरीं. पूण २०२० काळ आमी जियेल्लो काळ देखुन लांब इतिहास उस्तीनासतना हालींच्याच कांय चाळीस-पन्नास वर्सां फाटलो इतिहास पळयलो जाल्यार आमकां वाचुंक, समजुंक मेळटा तें म्हळ्यार; मनीस शेतां-भाटांनी, ल्हानसान वाठारांनी भरसुन आशिल्लो. प्रकृतिसवें लागशिलो संबंध (नातें) जोडून आशिल्लो. उपरांत टिवी नांवाच्या पिश्या डब्यांत (Idiot Box) रिगलो. घरां घरांनी टिवी आयिल्लीच, त्या टिविंनी दिसपी देशी विदेशी जायरातींनी आमची न्हेसपाची, जेवपाची, खावपाची आस बदलली. इतलेंच न्हय, आमी आमची संसकृती खिणान सोडून, अर्थ लागनाशिल्ले संस्कृतायेचे गुलाम जाल्यात. हांगासर प्रकृतीक नातें तशेंच मनशामदलीं नातीं, मनशाच्या मोलासयत उणीं जावन गेलीं. टिविंनी रिगिल्ले आमी उपरांत अंतरजाळिंत रिगल्यात, म्हायती, जाणवाय, गिन्यानाचो फाटलाव करीत मोबायलांनी घुसल्यात. मोबायलां, स्मार्ट फोनांनी आमकां एक वेगळो संसार रचून दिलो वा आमीच तो रचलो. जियेंवची रीत बदल्ली, दीसपट्टी जीण लेगीत ह्या ल्हान मोबायलान बदलली.

हांव बदलावणेक विरोध करपी न्हय, बदल सहज तशेंच गरजेचो. पूण ह्या बदलांत आमी कितें शेणवन आयल्यात , कितें होगडावन बसल्यात हाचो हे घडयेक नियाळ करपाचो म्हजो इरादो.

एका तेंपा आदीं गांवागांवांनी फेस्तांआसलीं, सोयरीं-नातीं एकमेकांक वर्साक एक फावटीं तरी मेळपाचो एक सुयोग हीं फेस्तां-सोभाणां करून दितालीं पूण आतां मोबायलांनी तांत्रिकता वापरून जेन्ना जाय तेन्ना आमी आमच्या सोयऱ्यांक, नात्यांक पळवंक, उलवंक तशेंच संपर्क करुंक शकतात. पयलीं टपाल एक माध्यम आसलें, टेलिग्राम आनीक एक माध्यम आसलें पूण आज कांय शेकड्यांनी माध्यमां आसात, तीं टपाल , टेलिग्राम वेवसते परस बळवंत तशेंच फुकट. इतलें सगळें आसूनय मनशांमधले बंध आयज लाचार आनी गरीब जाल्यात. आमच्या मोबायलांनी सर्व आमच्या कुटुंबा-नात्याचे, सोयऱ्यांचे नंबर सांबाळिले आसात, संपर्क करपाच्यो जायत्यो वाटोय आसात; जांव इमेल, वाटसाप, फेसबूक, मीट, झूम.... इतलेंच न्हय, आमी आमचे संदेश (टेक्स्ट, ऑडियो, विडियो रुपांनी) रेकोर्ड करून लेगीत फुकट धाडूं येतात , तरी आमी गेलेल्या दीसांपरिच निमाणे शून्यतायेचे दिशेन धांवत आसात, आमचेलागीं वेळ ना, चिंतुंक लेगीत वेळ ना. फकत धांवणी आनी पुंजावणी करप होत आमच्या जिविताचो उद्देश अशे निर्धारी पातयेवणेचेरआमी जियेतात.

२०२० वर्सा आमी शिकूंक येता असलीं साबार लिसांवां आसात. तांतले फकत तीन विशय हांव नियाळुंक आशेतां; मास्क , शिक्षण (Education) आनी योग्यता (Qualification):

कोंकणी वावर समाजीक जाळिजाग्यांनी भोव प्रमाणांत पळवंक मेळटा: चडश्या संस्थ्यांचो म्हळ्यार; कांय धा-वीस जाणांक एकठांय करून एक वेदी मांडची, जातूंत थोडीं कदेलां आनी मेज, थोडे फुलांचे बुके. वेदिचेर एक अपूरबायेन तयार केल्लें बॅनर, आनी त्या वेदिचेर मांडून दवरिल्ल्या कदेलांचेर बसतल्यांची शिफारस केल्यार सर्ग मेळता अशें चिंतून तांची व्हडवीक आनी तोखणाय करची. फोटो काडून, विडियो रेकोर्ड करून समाजीक जाळिजाग्यांनी घालप. असल्या कार्यावळींक आपल्या पत्रांनी जायरातीच्या रुपान मुखेल पानाचेर छापुन पोकळ संपादकांनी खरेंच कोंकणीक 'पोकळ' करपांत मुखेल वांटो घेतला. आनी हाजीर आसल्ल्या मत-गत नाशिल्ल्या धा-वीस जाणांक खावंक-जेवंक दिल्यार जालें. जालो कोंकणी वावर. वर्साक एक वा दोन असलीं धोंगां केल्यार जालो कोंकणीचो उद्दार. हटयो घडणुको काणयो न्हय पूण खरी हकीगत.

भास/संस्कृती /कला सोडाच, साहित्यिक संस्थांकडेन पळवया ; मुंबय शारांत कोंकणी चळवळीची बुन्याद घाल्ली तरी महाराश्ट्रांत अजून 'कोंकणी अकाडेमी' ना हाचेर वर्साक एक फावट तरी दुकां काडपी वृत्तीचे अजून आसात. पूण हेर राज्यांनी आशिल्ल्यो अकाडेमी आनी तांचो वावर पळयल्यार साहित्य अकाडेमी लेगीत आसा ती कोणाचीं तरी बोल्सां भरुंक. आनी नांव कमावप सोडल्यार साहित्यिक उदरगतीचे नदरेन तांकां कायंच पडून गेल्लें ना. हेर सोडाच, तांकां 'साहित्य म्हळ्यार कितें?' असो प्रस्न केल्यार तांचेलागीं जाप दिवंक जीब आसचीना. तांचीय कामां म्हळ्यार डोळ्यांक उदक लावपाचीं आनी खबरो (News/Hype) छापपाचीं

. एक घडी चिंतुया; कितें? आमी फकत खबरो आनी गरजेभायलो आवाज (हायप) केल्यार साहित्य उद्दार जाता? कोंकणी संघटना चड करून इतलेंच करतात . साहित्य अकाडेमी सारक्या संस्थांनी मुंबयच्या प्रांतीय दफ्तरांतय इतलेंच कार्य. तांकां सरकाराचो दुडू खर्च जाता हाचो दाखलो दिल्यार पुरो. आनी थंयच्या साहित्यिक भेटेंक लेगीत खंय थावन कोणाक आनी कितले फावटीं आनी कशें हाडचें आनी अशें केल्ल्यार आमकां कसली येणावळ आसा हांचीय गणितां जातात. आनी ह्या विध्वंसांत कोंकणीचो 'घासून /पुसून' धंदो चलयतना पळयताना तांचेर खरेंच वोंकारे येतात. आतां तुमीच सांगाय ; हें 'शिकप' वा 'योग्यता?', दोनय एक न्हय, वेग-वेगळें. गाडवाक डिग्री दितकच गाडव शिकपी जरूर जाता पूण 'योग्य' न्हय. कोंकणी फुडाराची खंत वा हुसको म्हळ्यार मास्क न्हेसून वर्साक एक-दोन फावटीं फुसकी मारीत जाल्यार कोंकणी फुलता? हो प्रस्न असल्या नालायकांलागीं विचारप गरजेचें. उपरांत लिपी, बोली, प्रांत, धर्म, जात, उंचली जात-सकयली जात ह्यो वंटी. आनी जितल्यो चड वंटी तितले सुरक्षित हे.

शिक्षण आनी योग्यता दोनय एक न्हय; वेग -वेगळें. हें कोंकणी भास आनी कोंकणी फुडाराचे नदरेन पळवप भोव गरजेचें.

एका तेंपा दीं रानांत जियेवन आसल्ले दीस नाकात, पूण थोड्याच शेकड्याचो इतिहास आमी घेतलो तर गोंय थावन कोंकणी लोक पळून गेलो. पळून गेलो हें उतर आडूक दिसत तर ' थळांतर' जालो म्हंटां. कारणां कसलींय आसूं येता; धर्मीक बंधन, भाशीक बंधन वा समाजीक अनिवार्यता. पूण त्याच वेळार आमच्या देशाचेर राज्य करुंक आयिल्ल्या वेग-वेगळ्यांनी; जांव इंगलीश, पोर्चुगीस वा हेरांनी लेगीत सबारांक धर्म परिवर्तीत केले आनी कोंकणी लोक समाजीक नदरेन गरीब आनी कश्टी जावन आशिल्ल्यान तांची शिकार करपाचें काम तांकां सलीसायेचें जालें. गोंया भायर कोंकणिच्यो रोंपयो ताणीं रोयल्यो आनी कोंकणी फुल्ली आनी पालेली. त्या वेळार लेगीत शिकप नासलें म्हण समजूया. पूण तांकां समजणी आसली. आयज आमचो कोंकणी लोक खंय मेरेन पावला? आयज आमच्या कोंकणी लोकालागीं शिकप आसा, सनद /डिग्री आसा, पदव्युत्तर, डॉक्टरेट,विज्ञानीक तकली, कृत्रिम बुदवंतकाय Artificial Intelligence आसा. पूण इतलें आसून लेगीत आमी सादारणपणान खंय आसात? आमची समजणी आमच्या पुर्वजांचे समजणेपरस वयर आसा? आमचेलागीं डीगऱ्यो आसात, सर्टिफिकेटो आसात, पूण कोंकणिच्या फुडाराच्या नदरेन अजून आमचें चिंतप 'मांड-कुर्पोणेचेंच' तेभायर हेर कितेंच ना. अजून आमचे 'शिकपी वर्गाचे, विद्वान' नव्यो वंटी घालपांत आपली बुदवंतकाय मानतात आनी ह्यो वण्टी पुसून काडचे दिशेन केल्लीं वा करपाचीं कामांय दिसाच्या उजवाडांत चुड घेवन सोदल्यारुय दिसनात. आयजमेरेन 'कोंकणी' एक 'पोकळ' करून कोंकणीक खोंकली हाडल्या ती असल्याच 'शिकपी/विद्वान' वर्गान अशें म्हळ्यार अजाप ना. सरकाराचो दुडू घेवपी नांवाजत्यो संस्था आसत पूण तांचोय मुखेल इरादो दुडू बळकावचो आनी लोकांक फटवचो हें सोडल्यार कोंकणिच्या फुडाराचे दिशेन तीन कासांचें काम लेगीत करपाची योग्यता तांचेलागीं ना. ह्या दिशेन मुखवयले पिळगेक लेगीत फटकिरी काणी घडवन भरकटावपाचें काम भोव वेवस्थित रितीन चलता. आनी असले दुश्ट आमी कोंकणी फुडाराचे सुधारक अशे मास्क न्हेसून लोकांक फटयतात आनी नागयतात.

जशें मोबायलांनी सगळीं संपर्क माध्यमां आसून आमची मत भाड्याक वतना, आयज डिजिटल माध्यमांत लेगीत भरपूर वाटो आसात ज्यो असल्यो वंटी पुसुंक न्हय पूण मोटव्यो करूंक पालव दितात वा ते दिशेन मजत करतात पूण परत होच सवाल उदेता ; आमचेमदीं 'योग्यता' आशिल्ले आसुंक जाय फकत 'शिकपी' न्हय.


**वल्ली क्वाड्रस**






## वीज कोंकणी - नीज कोंकणी

कोंकणी एक जागतीक भास; जात-कात, प्रांत्य-राज्य, लिपी-बोलिच्यो गडी उत्रून कोंकणी भाशिकांक समेसतांक एका मनांत कोंकणी भास वेंगुंक तयार कर्ची एक वेदी; वीज ई-हफ्त्याळें; कन्नड, नागरी, रोमी आनी मलयाळं लिपिंनी हऱ्येका हफ्त्यांत डिजिटल रुपार पर्गटून येंवचें ई-पत्र वाचुंक चुकानाकात. बरपां धाडुंक आमचो इमेयल पत्तो:



Dr.Austin Dsouza Prabhu
veezkonkani@gmail.com

# आशावादी प्रकाशनाचीं २० वरसां

(आंड्र्यू एल. डी'कुन्हा)



अशावादी प्रकाशनाच्या वीस वर्साच्या सुवाळ्या वेळार हांव म्हजो ईश्ट वल्ली क्वाड्रसाक परबीं पाटयतां आनी ताच्या कोंकणी मिसांवां खातीर ताका अभिमानान वंदन करतां आनी रचणाराचीं आनी कोंकणी लोकाचीं सर्व बेसांवां ताच्या वावराचेर पडोंदी म्हण मागतां

वल्ली क्वाड्रसाच्या बरपानी परत परत वाचुंक मेळचीं दोन वाक्यां सांगचीं तर एक, 'बदलावण मात एक कायम उरचें तसलें' (The only constant in this world is the change). दुसरें , काळखाक दोश दिंव नाका पूण वात पेटय. फारटल्या वीस वर्साचीं आशावादी चलून आयिल्ली वाट पळेताना वल्ली किते सांगता तें करित्त गेला. वेळा काळा प्रमाण बदलोन, वात पेटवन वाट रुंदावन, एका वीस वर्साच्या तर्नाट्याची चुरुकाय आनी उर्बा घेवन आशावादी प्रकाशन पर्जळून असा. वाल्लिलागीं ताच्या कळानासल्ल्या वावराविशीं विज्मीत जावन हांव उलयताना ताणें सांगल्लें म्हज्या उगडासांत आसा; "एक रूख /झाड आपले जिविता आवदेंत कितले घोट उदक पियेता, कितलें वोत भोगता म्हणच्यापरस, आपणें कितलीं फुलां/फळां दिलीं आनी कितलेश्यांक तांचो फायदो जालो हें म्हत्वाचें. आशावादी प्रकाशनाच्या साहित्यीक वावराची पट्टी वाचताना एके व्हड संस्थेन इतलो वावर केला हें व्होलमता.

वल्लीन पर गावांत जापसालदारकेचें काम आसल्यारय, कोंकणी बरयतल्यांक सळ करून,फाटीक पडोन, म्हेनत काडन बूक प्रगट करची व्हडली पिसाय आसल्ली आनी ती पिसाय आतांय सुटोंक ना. तुमिंच सांगा, वाळटर नंदळिके हाच्यो काणियो जमो करन आज प्रकट करूंक जाय जाल्यार तो कितलो ताच्या फाटीक लागला आसतलो? २००४ इस्वेंत हांव शारजा हांगा वावर करतना म्हज्या फाटीक पडोन म्हज्यो कविता एकठांय करून म्हजो पयलो कविता बूक व्हळू व्हळू व्हाळ व्हाळ्या आशावादीन प्रकट केल्लो.

"कयद्याची कविता" एच्चेमाचो काव्य संग्रह आशावादी प्रकाशानाचें सवें पुस्तक. ह्या पुस्तकांत कवी एच्चेम कितें सांग्ता तें आयकुया. 'छापो सयत आपोसतालादी थावन धंदो जाल्ल्या आयच्या युगांत आपापल्या बुका शिवाय कोणाक कोणाच्या बुकाचें पडोन गेलां? मागीर तांतल्या साहिताक कोलो न्हय तर रान दुकोर व्हरू. मानेसत वल्ली क्वाड्रस अजेकार अपोसतालादिचें काम करिना तर साहिताच्या वोडतांत म्हत्वाचें काम करुंक भायर सरला...ही गजाल आमकां कोंकण्यांक नव्या भर्वस्याची"... हीं उत्रां २००४ इस्वेंत एच्चेमान अशावादिविशीं बरयिल्लीं.

आमी जाणात , हें जिवीत सोबीत पूण ताचो अर्थ सोदुन पुराय होरावच्या आदीं हे जिवीत हेडायता, कुडयता, बडयता, धाडयता, सगळें घुंवडावन सोडता पूण उपरांत हासयता, उसयता आनी आरयता. अशें हांव सांगतां कारण सुमार ८ वर्सां पयलीं वल्ली कंक्नाडी म्हज्या दप्तराक अचानक भेट दीवंक आयिल्लो आनी ताणें म्हळें, तुका वेळ असल्यार मनोहर विलासांत चा पिवया . त्या वेळार वल्लीन कोंकणींत बरंवचेंच रावयिल्लें. ताणें म्हळें, हांव आशावादिचें एकांवट बंद करुंक आयिल्लों. हांवें म्हळें आशावादिचें काम सोंपलें? कोंकणीविशीं ,म्हाका कांय उलवंक नाका, ताणें म्हळें ...हांव मावन रावलों. ताणें ताचे कंपनिचें विजीटिंग कार्ड म्हाका दिलें आनी म्हळें, जर फाटल्या देड वर्सांनी कोंकणी कोंकणी म्हण बशीललों जाल्यार आयज हांव ह्या पोजीशनाक पावतों ना. हांव वोगो जाल्लों. हांवें मतितंच चिंतलें . 'कोंकणी उलय, कोंकणी उरय, कोंकणी आमची आवय' हें तत्व सदां अटवन जियेल्ल्या हाणें कोंकणी साहित्या थावन पयस रावचें मासळेन उदकाथावन पयस रावल्ल्या परीं. ताणें विशय बदल्लो. एकांवट क्लोज केलो. जालें. हांवें म्हळें, दायजांतल्या दायजाची कितें गजाल. तें बंद जालां. एका वर्सा उपरांत परत फोन आयलो. हांव होटेलांत असां तुका फुर्सत आसल्यार म्हाका मेळुं येता. हांव म्हजीं दोन पुस्तकां ताका दिंवच्याखातीर गेलों. ताणें तीं वर्त्या मोगान घेतलीं. म्हजेकडे दोन शब्द उलंवच्याआदींच उक्तीं केलीं. आतां कवितां बरयनातल्लो आनीक एक कोंकणी कवी ताच्या सांगाता आसल्लो. थोडो वेळ उलवन हांव गेलों. सांजेर वाल्लिचो फोन. तुजो बूक वाचलो. वाचून हांव विमर्सो बरवंक लागलां...व्हय, पांच स पानांचो विमर्सो बरवन ताणें फेस बुकाचेर प्रकट केलो...त्या उपरांत कोंकणी च्या वावराक अल्प विराम वा पूर्ण विराम घाल्लोच ना. ही आशावादिची गजाल.

२००१ इस्वेंत आशावादी प्रकाशन वल्लीन सुरवाट करतना ताचो दिश्टावो स्पश्ट असल्लो. कोंकणींतलें प्रिंट माद्यम कितलें लाचार आनी तांत्रीक सक्तेची गरज कितली आसल्ली तो जाणा असल्लो. ह्या दोनी माद्यमांनी पुस्तकां रुपान साहित्य वाडवचें आनी डिजिटल माद्यमांत वल्लीक आसची जाण्वय वाल्लिच्या यशस्वेक एक मुखेल कारण म्हण येता. आनी हाचो परिणाम कुवेट थावन २००१ इस्वेथावन २००९ मेरेन २७ कोंकणी बूक प्रकाशीत केल्यात. मुंबय थावन २०१७ इस्वेथावन २०१९ मेरेन २२ कोंकणी बूक प्रकाशीत केल्यात. पयलो ई बूक अनी ई नोवेल २००३ आनी २००५ इस्वेंतच ताणे प्रकट केल्यांत. २००८ इस्वेंत काणयांचो आडियो बूक आनी ह्या वर्सा कवितांचो आडियो बूक ताणें प्रकट केला. त्या भायर साहित्य अकाडेमी दिल्ली , गोवा कोंकणी अकाडेमी, गोवा युनिवर्सिटी, थोमस स्टिफन कोंकणी केंद्र,मंगळूर युनिवर्सिटी, मिलाग्रीस कोलेज, महराश्ट्र भाशा मंडळ, कविता ट्रसट, वीज ई म्यागजीन, उज्वाड पत्र अशा वेगवेगळ्या संस्थ्यांच्या सहयोगान साहित्यीक कार्यावळी मांडुन हाडल्यात. डिजिटल मळार कवितेची सुरवात २००६ इस्वेंत "तिंतेरांत पिंतुरां" नावार आरंभ जाल्ली. हांतूंत म्हयन्याचो कवी म्हण विंचवण आसताली. २००७ इस्वेंत "उत्रांत सूत्रां" नांवांन ही विंचवण मुखार गेली. २०१९ इस्वेंत पयणारी.कोम च्या फुडाकारान म्हयन्याचो कवी विंचवणेंत तीन लिपिनी बरवपी कविंक संद मेळटा.

हांगा एक गजाल हांवे सांगूक जाय. असलें काम कोंकणींत कोणेंय इतले उमेदीन केल्लें हांव नेणां. प्रिंट मिडिया लाचार असचें पळेवन, कोंकणी पत्रांक घट करच्या इराद्यान कोंकणी पत्रांक

अशावादी प्रकाशनान दिल्लो अधार खास. ह्या खातीर ताणें कुवेट थावन कोंकणी अभियान समिती घडवन २००३ इस्वे थावन २००७ सर दोन वर्सां निरंतर दिवो पत्राक, मित्र पत्राक, कोंकणी बुकांच्या आनी संगीत कोवळेंच्या विक्रेच्या वावराक अदार दिला. ताच्या समितीन घरां घरांनी वचून वर्गण्यो जमा केल्यात. उपरांत हेंच काम मुंबय थावन २०१८ इस्वेंत उज्वाड अनी दिवो पत्रा खातीर केलां.

कुवेटांत थोड्यांक तरी कोंकणी साहित्याकडेन ओडच्या खातीर कवितापाठ सुरवात करून आनी उपरांत मुंबयत फुडाकार घेवाण आयज मेरेन ४५ अध्ययन कामासाळां चलयल्यांत. तशेंच कथापाठ सुरवात करून ११ अध्ययन कामासाळां चलयल्यांत. २००३ इस्वेथावन दायज.कोमचेर कविता दायज सुरु करून आज मेरेन ११५ कविंच्या कवितेंचेर समीक्षा चलयल्या. अतां अतां यूट्यूब/पयणारिचेर डिजिटल कथादायज तो चलयता.

त्या भायर कोंकणी साहित्यीक सर्त २००५ इस्वे थावन दायज.कोम अनी अतां पयणारी.कोम थावन राश्ट्रीय थराच्यो साहित्यीक सर्ती तो मांडून हाडटा.

वल्लीन कोंकणी बरवप्यांचेर घाल्लो प्रभाव खास आसा. हो अशावादी एका कवीक आनी बरवप्याक मोतीं म्हण लेखता. तेखातीर कोंकणी बरवपी कश्टतना ताकाय अटेविटे भोगतात. थोड्यांक गुपीत थरार अनी थोड्यांक पब्लिक थरार ताणे केल्ली मजत खास. म्हालगडे साहित्यीक रोनाळड पिरेरा, ग्लेडीस रेगो हांकां ताणे तवळ तवळ भेट दीवन मजत केल्या. रोनालड पिरेरा कुमके निधी स्थापीत करून उपरांत पुस्तकां विक्रीचो अर्दो अदाय रोनालड पिरेराक मजत म्हण भेटयल्या आनी ताचो मोग दाखयला. वांटो. ताच्या एका संपादकीयांत हांवें वाचल्लें उगडास येता." आशावादी आनी पिशेंपण' हाचेमदीं आसचें अंतर एका केसाचें . तें समजुंक सगळ्यांक साध्य ना,"

अशावादी प्रकाशन वा वल्ली क्वाड्रस कोंकणीची सेवा करिना तर कोंकणेची जतनाय घेता.

आतां निमाणें उतर : नव्या आनी नवीकृत रूप आपणावन ( new and renewed version) आशावादी प्रकाशन कोंकणी लोका मुखार आतां उबें जालां. हांव खात्रीन सांगतां जर आशावादी प्रकाशनान केल्लें काम एके स्थापीत संस्थेन केल्लें तर आज ते संस्थेक अनुदान मेळपाचें, कितल्याच व्हड मापान मान सन्मान मेळपाचो .. कोंकणींतल्या व्हड संस्थानीं आशावादी प्रकाशनान केल्लीं व्हड कामां वळखुन घेवंक जाय . तांच्या सहवावराचो हात वा वेंग अशावादी प्रकाशनाक दींवची गरज आसा. वल्ली क्वाड्रसालागीं एनर्जी असा. पूण ही शक्त दोन पटींनी वाडूंक सहभाग वा कोलाबोरेशन जाय. ताच्या हातांक आनी मतीक केंदिंच पुरो म्हण भोगुंक नजो. परिणती आनी जाण्वाय वाडावंक आनी वांटून घेवंक, दुडवाची ससाय लाबोंक असल्या कोलाबोरेशनाची गरज आसा. फुडल्या वर्सांनी आशावादी प्रकाशनाक आनिक चड बळवंत आनी जैतवंत जांव म्हण मागतां. आनी पांच वर्सांनी अशावादी प्रकाशन सिलवर ज्युबिली चलयतना एक बळवंत संस्था जावन बदलूं दी म्हण हांव आशेतां. देव बरें करूं.


# कविता फेस्त २०२१

फेबरेराच्या २१ तारिकेर

**विश्व कोंकणी केंद्र मंगळुरांत**

चडतीक विवर वेगिंच दितेल्यांव

कविता ट्रूसट

कोंकणी कवितेंक समरपीत

एक मात्र ट्रूसट

**www.kavitaa.com**

# दायज थावन पयणारी: डिजिटल जागतीक रूपांतर (एच्चेम)



वल्ली क्वाड्रस आजेकार आनी म्हजी वळख कांय आयची कालची न्हय. १९९० थावन आमी एकामेकांक भोव लागशिल्यान वळखतात. पूण ताका पयले फावटीं मेळल्लों मुंबयत. त्या वेळार तो भायखळा एका नावांदीक इसकोलांत कंप्यूटर मेस्त्री जावन वावुरतालो. हांवे आनी ताणे इरानी होटलांत मसकापांव आनी मलाय दूद पियेल्लो उडास म्हजे मतिंत आतांय जिवो आसा इतलेंच न्हय , इरानी होटलाच्या मसका पांवाची रूच जिबेर आसा. उपरांत आमी मेळिल्ले मीरारोड ताच्या भाड्याचा फ्लॅटांत. स्वता एक बरो रांदपीय जावन आसच्या ताणें म्हजेखातीर स्पेशल कोरी रोट्टी केल्ली.आमी, म्हळ्यार - हांव, वल्ली, आंडऱ्यू, पंचू, बंटवाळ, केवीन डिमेल्लो, कार्कोळ, उब्ब, मूडबिद्री, किशू, बार्कूर, टैटस नोरोन्हा, मावरीस शांतिपूर हे सगळे चडुणे एकाच काळार कोंकणेंत बरवंक धरल्ले बरवपी. कवी मेलवीन रोड्रिगस मात आमकां थोडो सीनियर म्हण येता. विशेस म्हळ्यार आमच्या पयकिं चडावत फकत बरयणार जावन उरानासताना संपादक, प्रकाशक जाल्यात आनी आमचेसांगाता हेर बरयणारांक सांगाता घेवन चलोंक लागल्यात. कवी मेलविनान कविता ट्रसट उबें केलें, कोंकणी पोयेट्री सायट केली, पंचू झेलो पत्राचो संपादक जालो, आंडऱ्यूय थोडो तेंप मेंगलोर मित्र सैटिचो संपादक आसलो, मावरिसान उमाळो, काणीक पत्रां चलयलीं, हांवे किटाळ जाळिजागो, आर्सो पत्र आनी किटाळ प्रकाशन केलें तर, वल्ली हीं सगळीं कामां २००३ पासून लगातर करून आसा. पयलें ताणें दायज.कोम म्हळ्ळी सैट सुरू केली. उपरांत आशावादी प्रकाशन सुरू केलें. दायज जाळिजाग्यार कवितेक, मटव्या काणियेक संबंदी मयनावार, वर्सावार सर्ती घडवन हाडल्यो, साहित्य शिबिरां, संमेळ चलयले, कितलेश्या बरयणारांक सांगाता घेतलें, तांची पुस्तकां प्रकाशित केलीं आनी जायत्या तर्न्या बरयणारांक कोंकणी साहित्याकुशीन वोडले.

मुंबय थावन कुवेट पावल्या उपरांत वल्लीन केल्लो वावर उल्लेखनीय. त्या काळार ई मेलां सुरू जाल्लीं मात आनी हांव सायबर केफेक वचोन मेल चेक करतालों. हातांत बरवन स्कॅन करून बरपां धाडटालों. आनी वल्ली आमचीं बरपां टायप मारून दायज डोट कोमाचेर छापतालो. ऑन लायन सांगाता कुवेटांत ताचो ऑफ लायन वावरय चालू आसलो आनी कविता पाठ, कथा पाठ असलीं विचारसातीं कुवेट सारक्या परगावांत तो सराग मांडून हाडटालो. आनी असल्या विचारसात्यांनी मांडल्ले प्रबंद दायजार छापून आमकां वाचुंक दितालो. दायज - खऱ्या अर्थान कोंकणी साहित्याचें खजिनो जावन आसलें. तांत्रिकता आयचेतितली वाडूंक नाशील्या त्या काळार आनी इंटरनेट एक्सप्लोररार यूसर डिफायनड फोंट म्हण करून दायज वाचताले. आमच्या लोकल कंप्यूटरांत बरह फोंट आसल्यार मात आमकां दायज वाचुंक जातालें. असल्या काळार वल्लीन एक चित्र दीवन त्या चित्राचेर कविता बरंवचो तिंतेरांत पिंतूर ही कविता सर्त मांडून हाडल्ली . उपरांत उत्रांक सूत्रां म्हण ही कविता सर्त ताणें घेतली. हऱ्येका न्हयन्याक एक कविता वेंचून इनाम दितालो. नगद इनाम आनी बूक लेगीत. इतलेंच न्हय, वर्साचो कवी म्हण मेगा इनाम आसतालें. आनी म्हाकाच भोवशा २००६ व्या वर्सा दायज वर्साचो कवी पुरस्कार फाव जाला. ह्या भायर दायज वर्साचो काणिंयागार म्हण वर्सुकी पुरास्कार दितालो आनी स्टेन अगेरा, क्लेरेन्स कैकंब असल्या म्हान बरवप्यांक हे पुरस्कार फाव जाल्यात. चिकागो थावन दो| आसटीन डिसोजा प्रभू दायज डोटकोमाक सराग बरयतालो. सवालां - जापी वोळ धरून पत्रांनी किर्ते सक्कड वाचप्यांक वाचुंक मेळटा तें वल्लीन दायज डोट कोमा वरवीं वाचप्यांक दिंवचें भोव प्रामाणीक यत्न केल्ले. ताचो वावर इतल्याक रावोंक ना. सुटयेर गांवांक आयिल्ले तेन्ना हर म्हालगड्या , तर्न्या बरयणाराची तो भेट घेतालो. आनी मित्र पत्रा सांगाता मेळोन दायज साहित्य शिबिरां मांडून हाडटालो. ताणे वर्सावार चलंवच्या शिबिरांक तर्ने बरयणार राकोन रावताले. शिबीर म्हळ्यार विचार सातीं, प्रबंद मंडन, इनामां वांटप, कवी गोश्ठी आनी सांस्कृतिक कार्यावळी. सकाळच्या नाष्ट्याथावन सांजेच्या चाये मेरेन - अख्खो दीस कोंकणी साहित्याचें फेस्त म्हण येता. ताणे चलयल्ल्या शिबिरांनी आमकां जायते मालगडे तशें तर्न्या बरयणारांक मेळोंक, संवाद चलवंक एक सुयोग मेळटालो. आज असले अवकासच भोव पातळ जाल्यात. वल्लिचें काम इतल्याक रावनासताना आशावादी प्रकाशनाचे वतीन दायजार प्रसार जाल्लें ऑन लायन साहित्य आमकां बुकारुपार तो दितालो. म्हयन्यावार सर्तींनी उजवाडाक आयील्ल्या कवितांचो बूक, काणयांचें संग्रह तेभायर बरयणारांचें कवितेचे, काणयांचें, विनोदांचें बूक. नांवाक आमी संपादक मंडळेंत आशिल्ले पूण सगळें काम वल्ली वन मॅन आर्मिपरीं करतालो. म्हजे दोन कवितांचें बूक वल्लीन काडल्यात. २००४ इस्वेंत कयद्याचो कविता, कन्नड आनी नागरी दोनी लिपियांनी आनी २००६ इस्वेंत भामुणांचें चेडूं फकत कन्नड लिपियेंत. दो| असटीन प्रभुचो कविता बूकयी वल्लीन प्रकाशित केला. कवी आंडऱ्यू एल. डिकुन्हा मालगडो कवी तरी, ताचो पयलो बूक प्रकाशित केल्लो वल्लीन आपल्या आशावादी प्रकाशना वरवीं. उपरांत कवी आंडऱ्यूचे जायते कविता जमे आयले, प्रशस्ती - पुरस्कार ताका सोदित आयले.

इतलेंच ? दायज डोट कोम वर्सावार व्हड थरार साहित्य स्पर्धे मांडून हाडटालें आनी काणी, कविता, लेखन सर्तींक आकर्शक नगदी इनामां आसतालीं. दायज सर्तींचें खाशेलपण म्हळ्यार सर्तींत

पारदर्शकता आसली....फकत बरयणारांचीं नांवां, अभिप्रायच न्हय, अंकपट्टी सयत वल्ली दायज डोट कोमार प्रकाशित करतालो. पड्ड्या फाटल्यान कितेंच ना. सगळें पारदर्शक आनी प्रामाणीक. पूण दायज डोट कोमांत एक उणेंपण आसलें तें म्हळ्यार ही सायट फकत कन्नड हे एकेच लिपयेंत प्रकाशित जाताली. हाचो अर्थ गोंयच्या बरयणारांक वल्लीन भायर दवरल्लें अशें न्हय. नामनेच्या आनी युवा अशा गोंयच्या कोंकणी बरयणारांचीं बरपां वल्ली कन्नड लिपयेंत लिप्यंतर करून प्रकाशित करतालो. आनी तेन्ना आतांचेपरीं हें काम सुलभ करुंक कोंकण वर्टर नाशिलें. सगळें मॅन्युअली करचें पडटालें. आनी तें काम वल्लीन केलां. ह्या सांगाता कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमीक विसाव्या शेकड्याचो मटव्यो काणियो हो ग्रंथ लेगीत संपादून दिला. ह्या ग्रंथा खातीर बरयणारांक संपर्क करून, काणयो हाडून, गरज पडल्ले कडे लिप्यंतर करून, संपादन करचें काम सुलभ न्हय. हो बूक आतां एक आकर ग्रंथ जावन वापरुंक सलीस जाला.

आतां म्हज्या मोगाचो मित्र वल्ली क्वाड्रस दायज आसल्लो पयणारी जाला. दायज म्हळ्यार स्थावर म्हण अर्थ करून घेव्येता. जशें म्यूझीयमाक कोंकणींत दायजापुंजो म्हणटात. पयणारी म्हळ्यार जंगम - संसार भोंवचो. दायजा थावन पयणारीक वल्लिचें पयण फक्त आकस्मीक वा काकताळीय म्हण सांगोंक जायना. वल्ली कितेंय कर्ता तर तें हजार फावटीं चिंतून, वरवन पळवन, 'सलाह - मशवरा' करून करता. मदलीं कांय तीन वरसां दिसतात - वल्ली आपल्या खासगी कारणांक लागोन कोंणीथावनच पयस आसलो . हांव ताचो खास मित्र तरी म्हज्याय संपर्कांत नाशील्लो. ह्या वर्सांनी दायजान आपलो प्रसार रावयिल्लो. तीन वर्सांच्या अवधींत कोंकणी साहित्य संवसारांत जायती बदलावण जाल्ली, तांत्रिकता उपलब्द्यो वाडल्ल्यो. स्थावर थावन जंगम जातना म्हळ्यार दायजा थावन पयणारी जातना - वल्लीन ह्यो सगळ्यो उपलब्द्यो बऱ्योच उपेग केल्यो. एके लिपियेंत आसल्लें दायज पयणारी जातना - तीन लिपियांनी जावन - लिमिटेशन मोडून काडलें. आज पयणारी विश्वव्यापी जाल्या. लोरेन्स वी. बरबोजा तसले बरयणार यू.के. थावन, मोनिका बाय ऐरलेंड थावन पयणारीक बरयतात. दायजांत फकत अक्षरां रूपांत वाचुंक मेळोन आसल्लें साहित्य आज पयणारीर अडियो रुपार आयकोंक मेळटा, आनी थोड्या संदर्भांनी पळवंकय मेळटा. यूनिकोड तांत्रिकता वापरून साइट बांदून हाडल्या देखुन खंयच्याय ब्राउजराचेर सलीसायेन वाचुंक, आयकोंक, पळेवंक जाता.

पूण दायजाची परंपरा Legacy वल्लीन मोडुंक ना. दायजापरीं पयणारिंत लेगीत म्हयन्यावार कविता सर्ती चलतात, म्हयन्याचो कवी मान लाभता, वर्साचो कवी, काणियांगार पुरसकार जाहीर जातात. डो| आसटीन प्रभू सांगात्पणान कोंकणी मनश्याकुळाचो चमत्कारीक आत्मो ( कवी मेलविनाचें उतर ) विलफी रेबिंबसाच्या उडासाक वीज कोंकणी आनी पयणारी साहित्य स्पर्धय चलतात. एका वर्सा हांव ह्या सर्तींक कर्नाटक थावन वरयणार जावन आसलों. इतलेंच न्हय, पयणारी वर्सुकी खास अंक येता. आशावादी प्रकाशना वरवीं पयणारीर प्रकाशित जाल्लें वेंचीक साहित्य आशावादी प्रकाशना वरवीं पुस्तका रुपान प्रकाशित जाता. आशावादी प्रकाशनान आज मेरेन ४० बूक प्रकाशित केल्यांत, म्हळ्यार हें कांय ल्हान साध्य न्हय. वीस वर्सांनी चाळीस बूक म्हळ्यार वर्साक दोन बूक जाले. वर्सावार चलपी मित्र - दायज शिबिरां नात. कारण - आतांच्या तर्नाट्यांची साहित्यांत अभिरूच उणी जावन आयिल्लेंय एक कारण आसुंयेता. पूण हांगाआनी एक गजाल हांवे उल्लेख करची पडटा - कविता ट्रसटान चलंवच्या कविता सर्तींनी मुंबयचें स्रेय वल्लीक वता. मुंबय सारक्या म्हाशारांत फिर्गजे फिर्गजेक वचोन भुर्ग्यांक, तर्नाट्यांक सांगाता घालन, तांका तर्भेती दीवन , कविता सत्रांक तयार करप म्हळ्यार खंयच्याय साहित्य शिबिरापरस उणें कांय न्हय.

कितेंय जांव ; जांव दायज - जांव पयणारी - फकत URL बदल्ल्यात सोडल्यार कोंकणी साहित्य - साहित्यिक - कलाकरांविशीं वल्लिचो मोग आनी समर्पीत मनोभाव कुसकुटाचोय बदलोंक ना म्हण हांव तरी धीरान म्हंटां. वल्लीय बदल्ला म्हणोंक जायना. आमची इश्टागतय तशीच आसा. हाचो अर्थ आमचे मधें मनाभेद नात अशें न्हय. भावाभावांनी झगडचेपरीं आमींय उलवन पडटात. म्हज्या खासगी जिवितांत हांव कश्टांक सांपडल्या वेळार तो म्हजे कुमकेक धांवोन आयिल्लो आसा. पूण तो दुखेस्त आसतना ताचें दुख्ख ताणे आमचे सांगाता वांटून घेतल्लें ना. वल्लिची कालेतच तशी - तो मौनपणान सोसून रावता. हेरांचे दुख्ख मात ताका सोसाना. देखुन जावंक पावला तो सभावान एक कवी आनी आशावादी.

मोगाचो भाव वल्लीक, पयणारी आनी आशावादीक चियर्स.

MERIT FREIGHT SYSTEMS CO. LLC
Tel: 04-3964882, Fax: 04-3966021
P.O. Box 35101
Email: meritfrt@emirates.net.ae
Website: www.meritfrt.com

## जागतीक कोंकणी वावरांत SKA London

(लारेन्स वी. बारबोज, म्यांचेसटर. यू.के.)



SKA - London हाणी गेल्या वर्सा अपलो चाळिसावो जल्मदीस व्हडा दबाज्यान लंडनांत मनयल्लो . ह्या संदर्भांत मोकळीक केल्लो स्मारक अंको 'माणीक', SKA - London आरंब केल्ले साबार मानेस्त आयज नात पूण तांचा म्हेनतीचें फळ जावन SKA- London ब्रिटनांत, कोंकणी समुदाय अनी कोंकणी भाशेची सेवा करता. थोड्या वर्सां आदीं कोंकणी फिल्म-नट अनी कोंकणी वावराडी रोन रोड्रिगस हाणे आपल्या खळनातल्या म्हेनतीन हे संघटनेक पुनर्जल्म दिलो, ते उपरांत वेंचिल्लो प्रसतूत अध्यक्ष सुनील डिकुन्हा हाचे समर्पीत काम, विभिन्न रीतिचे मुखेलपण अनी नम्र सभावान SKA - London दीस वेता वेतां ब्रिटनांत कोंकणीचो बावटो ऊंच उभारायेक व्हरत आसा . SKA - London च्या सगळ्या साद्यांनी वांगड्यांनीं सागांता मेळोन काम करची रीत खास आनी शाबासकेक फाव.

### SKA - London आनी कोंकणी वावर

लोकाक सागांता हाडूक कितले कष्ट, तितलेंच कष्ट तांका एकवटीत दवरुंक, हें कार्य सुलभायेचे न्हय. SKA - London हाचो उद्देश जावन आसा, ब्रिटनांत कोंकणी लोकाक एकवटीत करप, कोंकणीच्यो विवीध सांस्कृतिक कार्यावळी घडवन हाडप , वंगड्यांचे गुण उर्जीत करप, कोंकणीखातीर वावुरपी आनी कोंकणी सामुदाया थावन ब्रिटनांत साधन केल्ल्यांक मान दिवप , गरज आसल्यांक आर्थीक वा हेर रीतीन सहाय दिवप. फाटल्या वर्सांनी SKA - London हाणी मांय गांवा थावन कलाकरांक हाडन लंडनांत कोंकणी संगीत सांज, चलन-चित्र सादर केला. वांगड्यांखातीर कोंकणींत सर्ती आयोजित केल्यात. वर्साक २-३ घडवन हाडपी SKA - लंडन च्या कार्यावळींक २००-२५० लोक येतात, आदल्या वर्साचे चाळिसाव्या जल्मा दिसाचे कार्यावळीक सुमार ५०० कोंकणी लोक अयिल्लो हो एक अभिमानाचो विशय . ह्याच वेळार प्रगट जाल्या स्मारक अंकांत ब्रिटनांत वसती करपी कविंची बरपां छापल्यांत.


### SKA - London अनी डिजिटल वावर



नव्या चिंतपाच्या ह्या २१ व्या शतमानांत सगळेंच वेगान जाता, डिजिटल माध्यमाचो इतिहास मटवो आसुं पूण फुडार लांब आसा. डिजिटल माध्यमांनी चडश्या मापान साहित्यिक वावर जायत आसा. हाची कोंकणी साहित्य पर्गटावपाचे वेगवेगळे जाळिजागे आनी राश्ट्रीय आनी अंतर-राश्ट्रीय कोंकणी संमेलनां आनी कवी-गोष्टी गवाय दितात. दुसरेवटेन युवजण चड करून तांत्रिकतेक गळसून डिजिटल माध्यमां तेवटेन पावलां मारतात, सोंपे रीतीन सांगचे तर हें 'डिजिटल यूग'. कोरोना वर्सांत परिस्थितीक लागून डिजिटल माध्यमाचो उपयोग साबार वाट्यांनी चड जाला, हें जाणा असल्ल्या SKA - लंडन चे अध्यक्ष सुनील डिकुन्हा आनी सागांत्यानी डिजिटल माद्यमाचेर, लाकडावन वेळार Life in Lockdown online singing competition आयोजित केल्लें . व्हडांक अनी भुरग्यां खातीर आशिल्ले हे सर्तींत ह्या स्वर्ध्यांत कोंकणी पदां गावन, ताचो विडियो डिजिटल माध्यमाचेर (Face Book अनी You Tube हांगासर उपयोग केल्लो) प्रकाशित करुंक असल्लो. संगीताचे सर्व रेग्रो-नियमां, नांवाडदीक व्होरयणार, अशें वर्त्या वृतिपर रितीन चलोन आशिल्ले हे सर्तींत ३९० व्हड आनी ३०० भुर्ग्यांनी भाग घेतला. भारत, नेदरलंड , आयर्लंड, फिलिपैन्स, ब्रिटन आनी आफ्रिका थावन सर्तींत भुरग्यांनी सर्तींत वांटो घेतला. दीसभर इंगलीश उलवपी ब्रिटनची कोंकणी भुर्गीं, हप्तोभर आनी कांय म्हयनोभर अभ्यास करून कोंकणी गायताना आयकोंचो अणभव आनी समाधान खास आनी वेगळेंच जावन आसा. डिजिटल माध्यमा वरवीं संवसारभर प्रत्येक लिपोन असल्ल्या कोंकणी गुणांक एके वेदिचेर म्हळ्यार डिजिटल वेदिचेर सांगाताक हाडून, ब्रिटनांत असल्ल्या कोंकणी भुर्ग्यांक कोंकणी भास, कोंकणी संगीतकार, कोंकणी गावपी/गावपिणी आनी कोंकणी पदां बरवपी हांची वळख करून दिवंची हो हे सर्तींचो उद्देश आशिल्लो. सर्त जे तरेन जाली ताचेवयल्यान आनी ती यशस्वी जाल्ली पळयताना, हो उद्देश साध्य जाल्यावरी दिसता.

डिजिटल माध्यम एक साधन पूण असल्या माध्यमा वरवीं Online singing competition आयोजित केल्ले दाखले कोंकणींत नात, पूण फुडल्या दिसांनी येतले असो भर्वसो आसा. Life in Lockdown online singing competition आयोजित करून, लोकांचें मनोगत आनी चिंतप डिजिटल माध्यमाकडेन आकर्शीत केल्या SKA - London हांचे काम कोंकणींत नवलाचें आसा.

## पयली अंतरराश्ट्रीय कोंकणी कविगोश्टी




ओक्तोबर ४: डिजिटल माध्यमाचेर पयली अंतरराश्ट्रीय कोंकणी कविगोश्टी; आयतारा (ओक्तोबर ४ तारिकेर) सांजेर ४:३० वोरांचेर गूगल मीट मुखांत्र आशावादी प्रकाशनान चलवन वेली.

बाब शैलेंद्र मेहतान स्वागत उलवपांत कशें वासतवीक जावन असाध्य जाल्लें काम डिजिटल माध्यमांत करुंक साध्य आसा; जशें केरळाच्या कोच्चिंतल्या एका कविचें पुसतक गोंयच्या प्रकाशकान प्रकाशीत केल्लें आतां मुंबय थावन मुखेलपणाखाल मोकळीक जांवचें जागतीक स्थरार सयत वीक्षकांनी पळेंवची संदी लाभली. डिजिटल माध्यमाक सकत करून आमी सर्वांनी मेळून कोंकणीक मुकार वरुंक जाय म्हणालो. ताणें बाय दो|जयंती नायक हिची ओळोक करून दितच, कोच्चीन केरळच्या कोंकणी कवी आर.एस.भासकर हांचो सात्वो कविताजमो 'चैत्र कविता' बुकाचें मोकळीक करून प्रसतावीक उलवप उलयिल्ल्या बाय दो|जयंती नायक (संपादक - अनन्य) हिणें डिजिटल माध्यमाक सकत करून कोंकणी साहित्याक नवो जीव, नवें त्राण लाभाशें कर्चे दिशेन सर्वांनी वावर कर्ची गर्ज म्हणाली.

म्यांचेसटर थावन बाब लारेन्स विनोद बारबोज, डबलीन थावन बाय मोनिका मथायस, कुवेयट थावन बाब क्लैव सोज, मुंबय थावन बाय पद्मजा कुंदाजी, कोच्चीन थावन बाब आर. एस. भासकर, मयसूर थावन बाय शीला भंडार्कर, बेंगळूर थावन बाय विल्मा बंटवाळ, गोंय थावन बाब नीलबा खांदेकर, बाय नयना अडार्कर, बाब गौरीश वेर्णेकर, बाय उर्जिता भोबे, मंगळूर थावन मा|जो.सी.सिद्दकट्टे, ग्लेनीश मार्टीस अलंगार हाणीं वांटो घेतलेली कविगोश्टी वल्ली क्वाड्रसान चलवन वेली.

प्रेम मोरसान ओळोक कर्न दितच बाय कन्सेपटा फेर्नांडीस आळव हिणें संपणेचीं उत्रां उलवन आज डिजिटल सकत गळसून आमी फकत आमची लिपी/बोली म्हणून बोसच्या बदलाक हेर लिपिंतलें साहित्य वाचुंक प्रेतन करुंक जाय म्हळ्ळो उलो दिलो.

# धिन्वास तुमकां

स्टीफन पिंटो कुंटल्पाडी

जोकीम पिंटो, वामंजूर

मा|स्टीफन डिसोज, अस्सिसी प्रेस

हिलरी टेल्लीस, बाह्रेयन

जोसेफ मथायस, दुभय

जेरी डिमेल्लो बेंद्रूर, केनडा

आसटीन प्रभू, चिकागो

वाल्टर नंदळिके

मोनिका डेसा मथायस, डबलीन

लारेन्स वी. बारबोस, म्यांचेसटर

सुनील डिकुन्हा, लंडन

एलास अलंगार, कोनी डी'कोसता

प्रीमा डिसोज लोबो, अस्सिसी प्रेस

जेन आलफोन्सो

अभिमानी

जनेर, २०२१

# पयणारी-वीज कोंकणी साहित्यीक सर्त २०२०



पयणारी.कोम आनी वीज ई-पत्रान २०२० इस्वेंत मांडून हाडल्ल्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक तीन लिपिच्या राष्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तींत जिकून आयिल्ल्यांचीं नांवां:

## मटवी काणी बरवंची सर्तः



**पयलें: वाल्मीकी** (नयना अडारकर, गोंय)
**दुसरें: नालिसाय** (रिचार्ड अलवारीस)
**तिसरें: कर्म** (चेतन कापुजीन)

### प्रोत्साह/हुमेदिचीं इनामां:



1. **निर्णयाचो निर्णय** (संधेश भांदेकर)
2. **मनीसपण काय मोग** (तानिया कीर्तनी)

## कविता बरवंची सर्त:



**पयलें: फ्लेटांत रावपी कवी** (महादेव गांवकार)
**दुसरें: वृद्धाश्रम** (नामदेव सुरलेकर)
**तिसरें: आर्सो** (मनोज नरेंद्र कामत)

### प्रोत्साह/हुमेदिचीं इनामां:



1. **श्रावणांतलो शिर्शिरो** (प्रथमी नायक)
2. **पावसाच्या दिसांनी** (नीता कुर्तीकर)

## विमर्सो बरवंची सर्तः



प्रसन्न निड्डोडी, डो|आरविंद श्यानभाग

## लेकन बरवंची सर्तः



लारेन्स विनोद बारबोज

## सर्तेचे वरयणार:



**शैलेंद्र मेहता, शरतचंद्र शेणय कोच्ची, मा|जेसन पींत, वल्ली क्वाड्रोस.**

# आशावादी २०२०

दसेंबर २०: २००० इस्वेंत कुवेयटांत सुरू जाल्ल्या आशावादी प्रकाशनाच्या २० वर्सुगेचो संभ्रम दसेंबर २० तारिकेच्या आयतारा सांजेर ४ थावन ७ पऱ्यांत डिजिटल माध्यमाचेर चलयलो.




उग्तावण काऱ्याचें सुंकाण घेतल्ल्या गोंयच्या श्री मल्लिकार्जून कोलेजिच्या हिंदी विभागाची मुखेसत दो|रूपा चारीन येवकार माग्तच वल्ली क्वाड्रसान अपल्या स्वागत उलवपांत "आशावादी आनी पिसो - ह्या दोनां मधलो अंतर एका सुताचो, आनी ही कोंकणी पिसाय अपणाक कशी लागली आनी सुर्विल्या दिसांनी अपल्या समकाळीन बरवपी मित्रां थावन मेळल्ल्या प्रेरण तशेंच पाटिंबोविशीं उलयीत, मेलवीन रोड्रिगसाच्या कामाचो तशेंच प्रगती प्रकाशनान घाल्ल्या प्रभावाचो उल्लेक केलो. ह्या वीस वर्सांच्या पयणांत चडणी आनी पडणेंत आधार, पाटिंबो तशेंच भर्वसो दिल्ल्यांचो उडास काडून, हो संभ्रम फकत एकल्याचो न्हय, बगार समेसतांचो म्हणालो.



कोंकणी सर्दार, विश्व कोंकणी केंद्राचो मुखेसत बसती वामन शेणय हाणीं काऱ्याचें उग्तावण करून दिल्ल्या अपल्या संदेशांत "आशावादी प्रकाशान अशेंच अपलो खळमीत नातलो कोंकणी वावर मुखारून वरून रुप्योत्सवाचो सुवाळो काऱ्यें सयत संभ्रमुंक तशेंच अपणाक तांतूं मेतेर करुंक उलो दिलो".



आंड्र्यू एल. डी'कुन्हान आशावादी प्रकाशनाच्या वीस वर्सांच्या पयणाचेर खोलायेन उलवन 'आशावादी प्रकाशन म्हळ्यार वल्ली क्वाड्रस, आनी वल्लिच्या बर्पांत तशेंच चिंत्पांत तो आशावादी. हो वावर एका प्रतिश्टीत संस्थ्याच्या वावराच्याकी कांय उणो ना, होच वावन जर एका संस्थ्यान केल्लो तर त्या संस्थ्याक मेळचो मान वेगळोच आसतो जो वल्ली क्वाड्रसाक मेळुंक ना' म्हणालो. आशावादी प्रकाशन मुखारून व्हरुंक वल्लीक जोक्तो पाटिंबो दिंवच्याक कोंकणी मुखेल्यांनी तशेंच संस्थ्यांनी मुकार आयल्यार ताचो प्रतिफळ खंडीत जावन कोंकणीक लाभच्यांत दुभाव ना म्हणालो.



एच्चेम पेर्नालान 'दायज थावन पयणारी' अशें अपल्या उलवपांत १९९० इस्वेथावन कशी अपणाची ओळोक वल्लिसवें जाल्ली आनी आज पासोन एका कुटमांतल्या भाभावांपरीं एकामेका मनभेद आसूनयी एकामेकाक आधार दिवून आयल्यांव म्हणालो. दायज आनी पयणाची मधें URL मात्र बदल्लां शिवाय वल्लीक बरवपी आनी कोंकणी साहित्याचेर आसचो मोग कुसकुटाचोय बदलुंक ना. बदलाक दायज फकत एका लिपीक सीमीत जावनासलें तर पयणारिंत ताणें विश्व व्यापी जावन बदलून तीन लिपिंत साहित्य पर्गटचें मात्र न्हय, पयलें फकत बर्पारुपार आसलें साहित्य आतां आडियो रुपार आयकुंक सयत मेळता म्हणालो. हेच वेळार समकाळीन बरवपी; मेलवीन रोड्रिगस, आंड्र्यू डी'कुन्हा, किशू बार्कूर, पंचू बंटवाळ, मावरीस शांतिपूर कशें फकत बरवपी/कवी जावन उरुंक नासताना प्रकाशक, संपादक जावन हेर बरवप्यांक सांगाता घेवून मुकार चल्ले पूण वल्ली क्वाड्रसान हें काम २००३ इस्वेथावनच सुरू केल्लें म्हणालो.



मुखेल सयरो जावन हाजर आसल्ल्या गोवा-न्यूस.कोमचो संपादक बाब संधेश प्रभुदेसाय हाणीं अपल्या उलवपांत; कोवीड मा-पिडेन मनशांक धोसलें आनी भेश्टायलें पूण ह्याच काळार डिजिटल माध्यम एक वरदान कशें जालें, आनी आज आशावादी प्रकाशनाच्या वीस वर्सांच्या वावराविशीं आयकून खरेंच अशें भगलें, हें काम गोंयांत जावपाक जाय आसलें पूण गोंयां भायर जाल्लें आमकां खूप अभिमानाचें काम. आनी आमी ३५० वर्सां पाटीं वचुंक सकानांव पूण डिजिटल माध्यमाचो थेंको घेवून आमी ३५० वर्सां पाटीं वचुंक सक्तांव आनी एक कोंकणी कुटम जावन कोंकणिच्या वाडावळेखातीर सांगाता वावर करुंक सक्तांव आनी ह्या दिशेन बाब वल्ली क्वाड्रसान अपल्या तांत्रीक गिन्यानाक हातेर करून मुखेलपण घेवंक आशावादी प्रकाशनाक उलो दिलो.



अखील भारतीय कोंकणी परिशदेची अध्यक्ष बाय उषा राणेन अपल्या उलवपांत आशावादी प्रकाशनाच्या वावरावी सविसतार वळोक आयकून अपणाक अशें भगलें अमी कोंकणी पासत केल्लें भोव थोडें. आनी ह्या पासत आशावादी प्रकाशनाच्या वल्ली क्वाड्रसाची थोकणाय केली.




गोंय कोंकणी अकाडेमिच्या 'अनन्य' जर्नलाची संपादक बाय दो|जयंती नायकान अपल्या उलवपांत; 'बाब वल्लिची आनी म्हजी ओळोक स वर्सांधीं जाल्ली, जेदनां ताची एक कथा म्हाका पावली आनी ती कथा म्हाका इतली आवडली म्हळ्यार हांवें फोन करून परबीं पाटयली. थोड्याच तेंपान हांव कोंकणी परिशदेक लागून मुंबय पावलीं आनी तेदनां वल्ली क्वाड्रस म्हाका मेळ्ळो पूण जेदनां तो गोंयां आयलो तो पयलो येतालो गोंय कोंकणी अकाडेमीक आनी आमी वोरांगटलें कथेविशीं उलयतल्यांव आनी ताचेथावन हांवें पार्किल्ली एक दूक जावनासा; 'आमचें कोंकणी साहित्य ग्रेसत आसा, पूण तें लिपिच्या बंदडेंत भांदून आसा, आमी त्या बंधडेथावन सुटका घेंवच्यो वाटो तयार करिजय' म्हणून. आशावादी प्रकाशनाच्या वावराक बरें मागून हें आशावादी प्रकाशन खरेंच कोंकणी साहितीक इतिहासांत एक मयलाफातर म्हणाली.

बाय रूपा चारीन 'पुसतक विमोचन' कार्‍याचें सुंकाण घेतल्या बाय मंगळूरच्या बेसेंट कोलेजिच्या पत्रिकोध्यम विभागाच्या मुखेसत बाय स्मिता शेणय हिची ओळोक करून दितच बाय स्मिता शेणय हिणें आशावादी प्रकाशनाच्या विमोचन जावंक आसच्या तीन बुकांची तशेंच बरवप्यांचो ओळोक करून दिवंक म्यांचेसटर (युके) थावन लारेन्स विनोद बारबोजाक उलो दिलो.



लारेन्स विनोद बारबोजान मोनिका डे'साची तशेंच तिच्या 'नवी दिशा' पुसतकाची, वाल्टर नंदळिके तशेंच ताच्या 'फांत्यापाराचें सपण' पुसतकाची, आनी स्टीफन पिंटो कुंटल्पाडी तशेंच ताच्या 'कोंबो आनी झूज' पुसतकाची वळोक करून दिली.







मोनिका डेसा मथायस

मानेसत जोसेफ मथायसान **'नवी दिशा'** पुसतकाचें विमोचन करून अपलो संधेश दिवून 'आशावादी प्रकाशनान पाटल्या वीस वर्सांनी केल्लो वावर पळेवन हांव खरोंच विज्मीत पावलों, आनी खंडीत जावन ह्या वावराक अपलो पाटिंबो फुडेंय आसतलो म्हणालो',



मोनिका मथायसान अपल्या उलवपांत 'मनीस जर अपल्या काळजांत सिंतिमेंतां नासताना आसतो तर तो एका फात्रापरीं दिसतो, देकून ह्या सिंतिमेंतांक साहित्याचें रूप दिल्ल्या म्हल्या काणियांक एकटावंक पर्गट केल्ल्या आशावादी प्रकाशनाचो, आनी ह्या पासत पाटिंबो दिल्ल्या कुटमाचो धिन्वास केलो'.







वाल्टर नंदळिके



मानेसत दामोदर मावजोन **'फांत्यापाराचें सपण'** पुसतकाचें विमोचन करून अपल्या संधेशांत 'कोंकणी साहित्यांत जेदनां वेग-वेगळ्या प्रांत्याचें साहित्य लागीं येता, तेदनांच कोंकणी साहित्याची खरी तांक कळता' म्हणालो.






स्टीफन पिंटो



मानेसत हिलरी टेल्लीस बाह्रेयन हाणें अपल्या उलवपांत स्टीफन पिंटोच्या वेक्तित्वाविशीं तशेंच ताच्या काणियांविशीं उलवन, ह्यो काणियो बुकारुपार प्रकाशीत केल्या आशावादी प्रकाशनाक धिन्वासलें.

बाय स्मिता शेणय हिणें मुकल्या भागाचें सुंकाण घेतल्या गोंयच्या श्री मल्लिकार्जून कोलेजिच्या कोंकणी विभागाचो मुखेसत दो|पूर्णानंद च्यारिची ओळोक करून दिली.



पुरसकार आनी इनामांच्या ह्या विभागांत पयलें 'पयणारी-वीज साहितीक स्पर्धो' विशीं उलयित्त दो|आसटीन डी'सोज प्रभून कशें पयणारी-वीज राश्ट्रीय अमट्टाच्या साहित्यीक स्पर्ध्यांची सुर्वात करून आतां तीन वर्सां संपयलीं, आनी फुडें सयत कोंकणिच्या उत्तीम साहितिंक ह्या स्पर्ध्यांत वांटो घेवंक उलो दिलो.



मानेसत जेम्स मेंडोन्सा दुभय हाणीं विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज राश्ट्रीय मट्टाच्या तीसऱ्या साहितीक स्पर्ध्यांत इनामां आपणायिल्ल्यांचीं नांवां घोशीत घोशीत केल्लेउपरांत अपल्या उलवपांत मानेसत जेम्स मेंडोन्सान; विलफी रेबिंबस तसल्या महान कोंकणी मनशाचो उडास काडून ताच्या मानाक हो स्पर्धो चलंवच्या पयणारी-वीज कार्भारिंक तशेंच स्पर्ध्यांत इनामां आपणायिल्ल्या समेसतांक परबीं दिली.



त्ये उपरांत पयणारी.कोम हाणीं २०१९ इस्वेच्या दसेंबरांत सुरू केल्या तीसऱ्या मयन्याचो कवी स्पर्ध्यांत इनामां जोडलेल्या भारा कविंचीं नांवां तशेंच वर्साचो कवी 'नीलबा खांदेकर' हाचें नांव घोशीत करून अपलो संधेश पाटयलो.



गोंय युनिवर्सिटिच्या कोंकणी विभागाची आधली मुखेसत दो|चंद्रलेख डी'सोजान 'अंतरराश्ट्रीय कोंकणी चिन्ह International Konkani Icon - २०२०' पुरसकार 'SKA (South Karana Association) हांकां घोशीत करून अपलो संधेश दिलो.



त्ये उपरांत कोंकणिंतलो पयलो डिजिटल कथा सादरीकरणाचो पुरसकार दे|फ्रेड्रीक क्वाड्रसाच्या यादिचो पुरसकार घोशीत जालो. फ्रेड्रीक क्वाड्रसाच्या पुतान रोशन क्वाड्रसान फ्रेड्रीक क्वाड्रसाची मटवी ओळोक करून दिवून कशें तो कोंकणी लोकांनीं एकामेका सांगाता जियेवन एकामेका आधार कर्चें सपण धरून जियेल्लो म्हणालो. मानेसत एड्डी सिकेर'न ह्या डिजिटल पुरसकाराक घोशीत केलें;




पयलें इनाम :क्रिसटोफर डी'सोज, नीनासम (कथाः लोकडावन)

दुस्रें इनाम : डोनी कोरेया पेर्नाल (कथाः बंधड)

तिस्रें इनाम (दोगांक): वी.पी.लोबो (कथाः सयरीक), आनी जेरी डी'मेल्लो बेंदूर (कथाः धूळ ती धूळ'च)

चोवतें इनाम (दोगांक): लिनेट डी'सोज (कथाः बोंबोयचो माम) आनी शांती नोरोन्हा (कथाः जल्मादिसाची काणीक)

पांचवें इनाम (दोगांक): लारेन्स विनोद बारबोज (कथाः जिण्ये सूत्र) आनी क्वीनी वेगस (कथाः लुंगी)


सवें इनाम (दोगांक): दो|जूडी पिंटो (कथाः लक्ष) आनी दो|पूर्णानंद च्यारी (कथाः एक मोर्नाचीट)



दो|पूर्णानंद च्यारीन मुकलो विभाग चलंवच्या बाब शैलेंद्र मेहताची ओळोक करून दितच हाजर आसल्ल्या मानेसतांनीं; सुनील डी'कुन्हा म्यांचेसटर, मा|प्रताप नायक, प्रकाश पडगांवकर गोंय, जेरी डी'मेल्लो बेंदूर केनडा, कन्सेपटा फेर्नांडीस आळव, विन्सी क्वाड्रस गोंय, फिलोमेना सांफ्रान्सिसको मुंबय हाणीं अपले संधेश दिले.

बाब शैलेंद्र मेहतान धिन्वास पाटयले.

## कार्यें चलवपी



दो|रूपा चारी, स्मिता शेणय, दो|पूर्णानंद चारी, शैलेंद्र मेहता




## 'कोण मुकार मुकार चल्ता
## तर मुक्लें मेट काडता
## कोण पाटिंच पाटिंच रावता
## तो रावल्ले थंयच उर्ता'

विलफी रेबिंबसाचीं हीं उत्रां कांय पंचवीस-तीस वर्सांधलीं पूण आज तीं खरीं जांवचीं दिसून येतात. संसार आतां डिजिटल युगांत रिगला देकून आमी सयत कोंकणीक डिजिटल युगाक वर्ची गर्ज आसा. ह्या मिसांवाची बुन्याद जावन 'विलफी रेबिंबसाच्यो कथा' डिजिटायज कर्चें मिसांव, त्या पाटल्यान चा.फ्रा.दे'कोसताच्यो कथा, सिरिवंताच्यो कथा अशें कोंकणिंतल्या उत्तीम कथेंक डिजिटायज (कन्नड-नागरी-रोमी ई-पुसतक, तशेंच आडियो बूक रुपार) कर्चें मिसांव आमी हातीं घेतलां. तुमचो पाटिंबो गरजेचो.

**यदाहां जीवमी, अहमाशांसे**

**जीव आसतासर भर्वसतां**

कोंकणिचो वावर भर्वश्यान मुकार वरुंक उलो

# कोंकणी मनशाक उटय

- वल्ली क्वाड्रस

कोंकणी
ಕೊಂಕಣಿ
Konknni
കൊങ്കണി
کونکنی

सूऱ्यो गेला वातिलागीं
किर्णां थोडीं मागुंक
दऱ्यो गेला तळ्यालागीं
उदक इल्लें हाडुंक
दीस बुडच्यादीं
काळबाण पडच्यादीं
गळो सुकच्यादीं
विचार मनांत आटय
आस्ड्यांची जेम सुटय
कोंकणी मनशाक उटय

उभारला अशीर दोरो
सावळी लेगून हुसकार्ता
अपलेंपणाचो जाला च्युरो
काळीज सयत सुसकार्ता
कुडिंतलो जीव संपच्यादीं
व्हारें विकाळ जांवचादीं
आंकर गोबोर जांवचादीं
मतिचो गोंदोळ सुटय
फुडाराची आस पेटय
कोंकणी मायेक नेटय

काल संपोन गेला
आज खंत कित्याक
फालें अजून आसा
पावलां काड्यां मुकार
वातीक सूऱ्यो कर्च्याक
तळ्याक दऱ्यो कर्च्याक
एकामेका खांद दिवुंक
काळजां मनांक जागय
कोंकणी मनशांक उटय
कोंकणी मायेक नेटय

## वाल्मिकी (नयना अडारकर)

२०२० इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज राष्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तेंत पयलें इनाम जोडलली कथा



मुखार आशिल्लो नरक... जिवेपणी भोगपाचो नरक. ज्या नरकांतल्यान आपल्यो कितल्योश्योच पिळग्यो गेल्यो तो नरक. 'पोरा लई शीक र बाबा. ह्या नरकांतनं भाईर पड' म्हणपी बापायक तरणे पिरायेर जिणेंतल्यान उठोवपी नरक...

मारणान दोळे धांपलें. दोळ्यांतल्यान झरझर व्हांवपी दुकांतल्यान शाळेंतल्या मास्तराची आकृती दोळ्यां मुखार झळकली. 'वाल्या कोल्ह्याचा वाल्मिकी झाला...' मास्तर शिकयतालो आनी मास्तरा फाटल्यान सगळीं भुरगीं तीं वाक्यां म्हणटाले. पूण मारण मात बारीकसाणेन काणी आयकतालो. वाल्या कोळी वाल्मिकी जालो. म्हणजे साधू जालो. ताणें राम-सितेची काणी बरयली आनी व्हडलो मनीस जालो. हांवूय वाल्मिकी. मारण दगडू वाल्मिकी. माणकुलो मारण सपनेलो आपूण साधू जालां आनी चोपडेर बरयतां. बापूय विचारता, 'काय लिवतस र पोरा?' 'बापा, मी रामायन लिवतो.' बापायन अपुरबायेन ताचे तकलेर हात भोंवडावपाक उबारलो....

फडाक करून ताच्या सोणकुलाचेर बेतकाठी पडली. 'शिंच्या तू रामायन लिवतोस. शाळेत शिकायला आलास म्हणजे वाल्मिकीशी बरोबरी करू लागलास?'

मारणान रगत झिरपुपी आपलो ओंठ दामून धरलो. 'मास्तर, मी पन वाल्मिकी हाय.' मारणाच्या तोंडांतल्यान नकळटां उतरां आयलीं.

वाल्याचो वाल्मिकी जालो हो धडो शिकोवपी मास्तर मात हातान बेतकाठी आशिल्ले वाल्याचे सुवातेरूच उरलो. नीच. लोकांक मारपाचेंच चिंतपी. बेतकाठी मारणाच्या हाता-पांयार शेपलायत मास्तर बडबडपाक लागलो, 'काय शिंच्या मारणा, तू पण वाल्मिकी हायसं का? मेल्या ते वाल्मिकी रूशी होते. अन् तू जातीनं वाल्मिकी. म्हणून तर बांकड्यावर न बसता हिकड गोणपाटावर बसलाय. एवढ पण समजना काय. चल उठ दरवाजा बाहेर, कोंबडा हो.'

सगळीं भुरगीं फिदीफिदी हांसली मास्तराच्या उतरार. सगळ्या आंगार बेतकाठयेचो मार सोंशिल्ल्या मारणाक मात हें फिदफिदप सोंसूक जायना जालें. तो मोन्यानी दुकां गळयत दारा भायर येवन आखाण्याचें बोट धरून ओणवो जावन कोंबो जालो. ताचे आंग सणसणटालें ताचे कितलेशेच पटीन ताचे तकलेंत कितल्याशाच प्रस्नांच्यो मुयो चलताल्यो.

वाल्या वाल्मिकी आनी हांवूय मारण वाल्मिकी. तो साधू आनी हांव... हांव कोण? ताच्या दोळ्यां मुखार बापूय आयलो. कोणाली शेणाची गायर, संडासाचें फोंस उसोवन लकत लकत घरा येवपी. ते सुवातेर तो हातपांय धुवन, कपडे बदलून येतालो खरो, पूण ताच्या आंगाक ती दर्पटसाण आसताली. त्याच आंगान तो पाटी घेवन अभ्यासाक बशिल्ल्या मारणाक वेंगायतालो. पयलीं पयलीं ओंकारो हाडपी त्या वासाची माराणाकूय संवय जाल्ली.

'आर दगडू, पोरास साळंत का म्हून पाठिवतो रं? कामास संग न्येल तर चार पयकं हातावर पडलं.' भिसून मारणाच्या बापायक म्हणिल्लें, तेन्ना तो उसळ्ळिल्लोच. 'आर माजं पोर हाय ते. ते शिकलं साळा. मोट व्हनार ते. माज्यावानी लोकांची घाण साफ नाय करनार.' मारणाक लागीं ओडीत ताणें म्हणिल्लें, 'पोरा शीक लई शीक तुज्या भावंडाशीं पन शिकिव...'

...हांवूय वाल्मिकी. हांव शिकतलों. व्हड जातलो. 'बापा'क ह्या कामांतल्यान मुक्ती दितलो म्हणून जिद्दीन शिकत रावलो मारण. बुद्द दिल्ली देवान ती मास्तरांक दिसताली. पूण त्यावूयपरस चड दिसताली ती ताची जात. 'पायतणाची जागा पायतणांतच' म्हणीत मारणाक फाटल्यानूच दवरलो मास्तरान. वर्गांत फाटल्यान साकार बसयतात तसो. ताची बुद्द पारखुपी कोणूय ताका मेळिल्लो जाल्यार?...

मारणाक आपलो बापूय याद जालो. दगडू धोंडू वाल्मिकी. पांच भुरग्यांचो बापूय. भुरग्यांक बऱ्या कामाक लायतलो ही मोख दोळ्यांमुखार दवरून घाण उस्पितालो लोकांची. दोन मनीस खोल शेणाच्या गायरेंत, गुवाच्या फोसांत देंवतालो. सुरक्षेची कसलींच साधना नासतना. सकाळीं भायर सरून गेल्लो बापूय सांजवेळचो परतो येतलोच म्हणून शाश्वती नासताली. ताच्या वांगडा वचपी कितलेशेच तरणे, भुरगे ह्या गायरींनी, फोसांनी घुस्मटून मेल्ले. 'वाल्मिकींच्या नशिबांतच आसतं हे. तिथं कोन कुनाला रडणार' म्हणत दुसऱ्या दिसा परत फोसां, गायरी सोदीत भोंवताले. जगलोकांची घाण उक्त्या पांयांनी माड्डिताले, उक्त्या हातांनी उस्पिताले. मरणाक ताळटार घेवन देंवताले ते घाणींत. उरलो, वांचलो जाल्यार भायर येवन सोरो ढोसताले.

पुस्तक उगडून रस्त्यावयल्या लायटी पोंदा बसून अभ्यास करपाक बशिल्ले कडेन मारणाक त्या विखयाळ्या गॅसांत घुस्मटून मेल्ल्या आपल्या वांगडच्या भुरग्यांच्या बापांयची याद जाताली. ते मेले, गेले. फाटल्यान आपल्या भुरग्यांकूय त्याच घाणयाऱ्या कोंडांत ओडून. शिकपाचें वय, पूण सगळेच बापूय मारणाच्या बापायभशेन नासलें, आपल्या पोटाक काट मारून भुरग्यांच्या शिक्षणाखातीर

वाट काडपी. त्या बापायक बरी जीण दिवपा खातीर मागीर मारण जीव तोडून शिकतालो.

सातवेंत पाविल्लो मारण नगरपालिकेच्या दिव्या सकयल अभ्यास करपाक बसता तें पळोवन दगडूचें काळीज कातरतालें. एकदीस मारणाक आपले वेंगेंत घेवन खूब रडलो दगडू. 'बापा रडू नगं. का रडत उगचं.' आपल्या दोळ्यांतलीं दुकां भितरले भितर जिरयत मारणान म्हणलें. 'उगं नाय रे पोरा. तुले शिकाचे तेबी नगरपालिकेच्या दिव्यांत. पोरा म्या काय करू र'

'बापा नगं रडूस. मी शिकन आनी बादू, मंजीसबी शिकवीन.' मारण बापायच्या मनाक सांत्वना दिवपाक उलयलो खरो. पूण हें शिकप दिसादिशी आपल्या मनधैर्याचेर कशो तरसाद्यो वावडिता हें ताकाच खबर आसलें. पयलेंतल्यान सवे मेरेनच्या मास्तरांनी ताका सतावपाचें व्रतूच घेतिल्लें घडये. जातीचे साणीर सगळे ताका झरयत आसले. निरशेणीची काळी सया अश्या वेळार मारणाच्या सपन पणटेसकयल येताली. ताणें आस सोडूंक नासली. पणटी मंद काय जायना मिणमिणटाली.

अंदूं सातवेंत पाविल्लो मारण. तांचे शाळेंत इन्स्पॅक्शन आशिल्लें. वर्सावरी अंदूंय इन्स्पेक्टर शाळेंत येतलो. ताणे विचारिल्ल्या प्रस्नाच्यो जापो दिवपाक हात वयर केल्यारूय तो आपल्याक विचारचोना हें संवयेन खबर आशिल्लें मारणाक.

पूण अंदूं वेगळेंच घडलें. शाळेंत आयिल्ल्या इन्स्पेक्टरान मारणाक फाटल्यान साकाचेर बसयला तें पळोवन फोग काडलो मास्तराचो. मारणाक उठोवन पयल्या बाकार बसोवपाक लायलें. आयुश्यांत पयलेच फावट मारण सवर्णांच्या भुरग्यां वांगडा बांकार बसतालो. चोर जाल्लेभशेन आंग चोरून बांकाच्या देगेक बसलो तो. इस्पेक्टरान प्रस्न विचारले. दर खेपे मारणाचो हात पयलीं वयर येतालो. आनी विचारिल्ल्या प्रस्नाची जापूय बरोबर आसताली. इन्स्पेक्टर मारणाचेर खूश जालो. ताणें ताची वासपूस केली. प्रज्ञासोद परिक्षेक मारणाक केन्नाच बसपाक दिलें ना तें पळोवन तो तिडकलो. ताणें मास्तर आनी वेवस्थापनाक धारेर धरलें. तालुक्यांत शाळेची कागाळ करपाची भास तो उलोवपाक लागलो. मास्तरान माफी मागतकच ताणें अंदूंच्या प्रज्ञासोद परिक्षेचो फॉर्म मारणा कडल्यान भरून घेतलो. 'फॉर्म भरायला उशीर झालाय, पण ते मी बघेन. ह्याची तालुका स्थरावर मी शिफारस करणार' अशें ताणें शाळेच्या वेवस्थापनाकूय सांगलें. ताणे आपल्या कडलीं कांय पुस्तकां मारणाक दिलीं. 'बाळ, खूब अभ्यास कर. प्रज्ञाशोध परिक्षेत तालुक्यांत पहिला आला पाहिजे. तुला आठवीसाठी तालुक्याच्या शाळेत नेण्याची अन हॉस्टेलमध्ये ठेवण्याची जबाबदारी माझी.' ताणे मारणाची फाट थापटीत म्हणलें. मारणाच्या दोळ्यांतल्यान झरझर दुकां व्हांवपाक लागलीं. फाटलीं सात वर्सां ताका अशी वागणूक मेळूंक नासली.

दगडू मारणाची गजाल आयकून खूश जालो. ते राती तो पियेनासतना घरा आयलो. 'पोरा मोप शीक. मी आजपास्नं दारूला हात नाय लावनार. ते पैकं मी ठेईन तुझेसाठी.' मारणाचो आनंद दोट्टी जालो. प्रज्ञासोदाचे परिक्षे खातीर मारणान खूब मेहनत घेतली आनी ताचे पेपरूय बरे गेले. उमेदीन तो त्या दिसा घरा वचपाक भायर सरलो.

पूण ताची उमेद घरा पावता म्हणसर बावून गेली. सकाळीं भायर सरून गेल्लो बापूय दनपार मेरेन मडें जावन घरा परतल्लो. दगडू, भिसू आनी शेवडू हे तिगेय सावकार सोपटेच्या बंगलीचेर फोंस उसपूंक गेल्ले. दगडू पयलीं फोंसांत देंवलो. भितर तयार जाल्ल्या मिथेनवायूत तो घुस्मटूंक लागलो. ताका वाटावपाक भिसू सकयल देंवपाक सोदतालो. पूण अशीं जायतीं मरणां पळयल्ल्या अणभवी शेवडून भिसूक फाटीं ओडलें. भिसू आनी शेवडून खूब आड्डी मारल्यो. पूण सोपटे सोडूच तांचे बंगलींत आशिल्ले नोकरचाकरूय मदतीक आयले ना. मेलो तो जातीन वाल्मिकी, ताका हात लावपाचें धाडस त्या नोकरांक नाशिल्लें. ओगीच नोकरेचेर पांय येत म्हणून ते सगळे पयसुल्ल्यान सगळें पळयताले. मिथेनाचो प्रभाव उणो जातामेरेन भिसून आपयिल्ले जातभाय थंय एकठांय जाल्ले. तांणीच दोरयेक केकलें लावन दगडूच्या धोतराक आडकयलें आनी ताचें मडें वयर काडलें. घुस्मटून गेल्लो दगडूचें आंग गुवान लेबडल्लें, तोंडांत लेगीत... थंय आशिकुशीक उबे रावन मजा पळयतल्या लोकांनी ओंकारे काडीत थंयच्यान धांव मारली.

आपल्या बापायक बरे दीस दाखोवपाचें सपन पळयतालो मारण. तें सपन 'बापा' वांगडा मसुंडेत जळोवन आयिल्लो मारण. एकटोच जोडपी दगडू आतां ना जाल्लो. आतां ताच्या खांदार संवसाराचो भार पडिल्लो. ताणें बापाक उतर दिल्लें, बादू, मंजीसबी शिकवेन. मारण एका दिसानूच जाणटो जाल्लो. शिकूं काय संवसार पळोवं. एकेवटेन बापाचें सपन आनी एका वटेन पोटाचें हवन. पूण बापान सांगिल्लें, 'वाल्मिकीच काम नग करू पोरा. शीक अन सायब हो' मारण दारादारांत भोंवलो, शेताचें, घरांतलें कसलेंय काम दी म्हणून हात पसरले. पूण काम सोडाच, उतरांचो मार मात सोंसचो पडिल्लो. 'आरं दिलं आसतं रे पोरा. पन कायये, गांवकऱ्यांचबी ध्यान ठेवाव लागत.' सरपंचान म्हणलें.

'आरं, वाल्मिकी तू, तुझ कामचं ते. शिकुनबी काय दिवं लावनार हाईस.'

अख्खो गांवभर भोवलो मारण. पूण अख्ख्या गांवकारां खातीर तो वाल्मिकी आशिल्लो. सामको हीन. ह्या सगळ्यांची घाण काडून सगळें लीप करपी मनीस हीन. ज्युस्त कावळ्या भशेन. तोवूय

करता लीप सगळो वाठार घाण खावन. पूण ताकाय हाड-हुडूत-हुर्र करतात हे लोक. मनीस आसुनूय मनीस नाशिल्लो आपूण आनी आपलो समाज. मारण सामको तुटून गेलो.

'मारण पोरा, दगडूचे सपान होतं र, तू शिकुबी म्हनून. तू म्हमईला जा. तिथं मोप कामं असत्यात म्हनत्यात. तू बी चार बुकं शिकुलेय. कसलबी काम करून म्होरं शीक पोरा.' भिसून म्हणलें.

म्हमई म्हणजे मुंबय. कितलें पयस. आयुश्यांत केन्ना गांवाभायर पांय दवरूंक नाशिल्ल्या मारणान 'आय' आनी भावडांक सोडून मुंबय वचप पिशेपणाचें जावपाचें. ना वळख ना पाळख आशिल्ल्या मुंबयचो विचार मारणान सोडून दिलो.

कितलो भोंवलो तरी कसलेंच काम मेळ्ळेंना. बापायन जोडिल्लें आनी आवयन किरंवटीक खोवन दवरिल्लेंय सगळें सोंपलें. कसलोच पर्याय नासून आयज तो भिसू आनी भिसूच्या पुता वांगडा शेणाची गायर उसपूंक आयिल्लो. शेणामुताची खातसाण ताच्यान सोंसू नज जाली. गायरेंत वळवळपी किडे पळोवन आतकडीं तुटून ओंकारो येतलें कशें दिसपाक लागलें. ही शेणाची गायर आनी बापा देंवतालो तें गुंवाचें फोंस. कशें सोंसलें आसतलें ताणें हें सगळें. म्हणुनूच ह्या सगळ्यांपसून पयस दवरपाक सोदतालो ताका ताचो बाप. दीसरात शीक रं पोरा, शीक म्हणून ताच्या फाटल्यान लागतालो. सगळें येवजून मारणाच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवपाक लागलीं. आयज गायरेंत देंवलो जाल्यार बापाचीं सपनांय गुवा-शेणांत लोळटली. आनी आपल्या वांगडा बाद्दू, मंजी आनी सगळी भावडां हे घाणींत लोळटली. कसलोतरी निश्चेव करीत मारणान दोळ्यांतलीं दुकां पुसलीं. 'काका,' ताणें भिसूक म्हणलें, 'मी म्हमईला जाईन. मले बापाच सपान पुरं करायचे...'


इतल्यान मंजी थंय धांवत आयलो. 'दादा, तुले गुर्जी शोधायले. तू तालुक्याला पैला आला म्हणालेय.'

मारणाचे वाऱ्यान पालपी पणटेक त्या इनस्पेक्टरान दोनूय हातान राखिल्लें. आतां ताचे सपन पणटेची वात रमरमीत पेट्टली आसली. मारणाच्या ओंठार हांसो फुटलो...

# तिची काणी



## दो|जयंती नायकच्यो कोंकणी कथा




MERIT FREIGHT SYSTEMS CO. LLC

## फ्लेटांत रावपी कवी

(महादेव सातू गांवकार)

२०२० इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज राष्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तींत पयलें इनाम जोडलली कविता





फ्लॅटांत रावपी कवी हांव
विचारांनी कवनां फुलयतां
पागोळेचें उदक पळोवन
घोग्यांनी पावस झडयतां

मिर्गाचो पयलो पावस
आंगार आजून घेवंक ना
उदकांतले खेळ करून
कोणींत केन्ना पेवंक ना
शावराचें उदक न्हावन
पावसाचो आनंद मेळयतां
फ्लॅटांत रावपी कवी हांव
विचारांनी कवनां फुलयतां

बैलांच्या खांदार जूं दवरून
शेतांत जोत धरूंक ना
आडास-तास मारून केन्ना
कुणगेय चार पेरूंक ना
मनांतलीं बियां फाफडून
गुठो वयर भोवयतां
फ्लॅटांत रावपी कवी हांव
विचारांनी कवनां फुलयतां

शेरकाटेन काडलेले कुल्यांचे
देंगें आजून पेचूंक ना
हातीन निमसो दिवो घेवन
दिपकोवंक केन्ना वचूंक ना
खंयच्याय वेळार हुंवार हाडून
चडोवणेचें नुस्तें चडयतां
फ्लॅटांत रावपी कवी हांव
विचारांनी कवनां फुलयता

गरयेक गांयडोळ लावन
न्हंयेचेर केन्ना गरोवंक ना
शेतांत कोंगें कशे आसता
तेवूय आजून पळोवंक ना
गायरेतले बेबे व्हरून
शारांनी तांकां रडयतां
फ्लॅटांत रावपी कवी हांव
विचारांनी कवनां फुलयतां

रानांत वचून रोयणीचीं
अळमीं आजून काडूंक ना
पावसांत मेळपी तेरें-तायकीळो
स्वता केन्ना हाडूंक ना
आकांताचें वारें हाडून
झाडां-पेडां धोलयतां
फ्लॅटांत रावपी कवी हांव
विचारांनी कवनां फुलयतां

कागदाचीं व्हडीं करून
उदकांत आजून सोडूंक ना
पिसारो फुलयल्लो मोर
नदरेक केन्ना पडूंक ना
तोंडातलें उदक फुस्स करून
इंद्रधोणूस कसो उबयतां
फ्लॅटांत रावपी कवी हांव
विचारांनी कवनां फुलयतां

गांवची जीण जगपाचें भाग्य
नशिबांत म्हज्या येवंक ना
गावं, सैम हांचेर बरयतना
कांयच कमी पडूंक दिवंक ना
शारांत रावून बेसबरो
कवितेंत गांव चित्रायतां
फ्लॅटांत रावपी कवी हांव
विचारांनी कवनां फुलयतां
पागोळेचें उदक पळोवन
घोग्यांनी पावस झडयतां

## नालिसाय! (रिचार्ड अलवारीस)

२०२० इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तींत दुसरें इनाम जोडलली कथा



लोक सगळो तळ्या भंवतीं जमल्लो.. सकडांच्या तोंडार आकांत उठोन दिसतालो.

आंतोन आनी जुलियाना हाक बोब मार्तालीं. तांच्या मोगाची धूव तांकां सांडून सासणाच्या जिविताक पयण करून गेल्ली. भयण निलिमा मत चुकोन पडल्लें!

'अशें कशें जालें?' सवाल सर्वांच्या मतिंत!

अपुरबायेचें कणस.. हाणे कित्या जीवघात केलोगाय? सेलीन चुर्चुरली

चुनो काडल्ल्या फोंडाबरी थोड्यांची जिणी सेलिना.. भितरली कुसडाय कोणाक कळीत! सुनिता हुळवुळ्ळी.

वांजेलाचीं उत्रां तुज्या जिबेरच आसात. कांय कोणे पुणी पाड कर्न लगाड काडलांगी म्हणी? सेलिनाक हें मरण सहज म्हण दिसलेंना.

ताका कोण एकलो तेनको आसल्लो म्हण आयकालां हांवे. जेरी आपल्या इष्टा सिपरिलागीं म्हणालो.

कितें उलयताय सायबा तूं? इतल्या ल्हान प्रायेर 'बोयफ्रेंड' आसा म्हणताय तूं? त्या चेडवाचो गुपीत मोग करन आसल्ल्या सिपरीन विचारलें.

तूं खंयच्या काळार आसाय सायबा? आतां पांचवी-सवे क्लासिंतच भुर्ग्यांक 'लव' सुरू जाता म्हण तुका कळीत नाये.. हें धावे क्लासिंत त्या भायर.. आन्येक कसलिगी खबर आयकाल्या हांवें.. जेरी रावलो.

कसली खबर सायबा? तुका एक खबरो कोण सांग्तागी? सिपरीन बेजाराय उचारली.

तें गुर्वार आसल्लें खंय. देकून बहुषा नालिसाय नाका म्हण तळ्यांत उडोन मेलां.. आतां पळे सगळ्या कुटमाकच नालिसाय! जेरीन सांग्ताना सिपरीन जाप काडलिना. तो थंय थावन जम्या मधें गेलो. आपणें गुपीत मोग केल्ली चली तसली न्हय म्हण ताचें काळीज बोब घालन सांगालागलें.

जम्या मधेंय विवीध खबरो आशार पाशार जाताल्यो. थोडीं मोबलायर 'लैव' धाडन आसल्लीं.

निमिता व सर्वांक मोगाचें निम्मी कितेंच खबर नासतां शास्वत निदोन आसल्लें!

निम्मी, आंतोन आनी जुलियानाच्या दोगां भुर्ग्यां पयकी दुस्रें. मालघडें निलिमा पियुसी संपवन टैलरिंग कोर्स कर्तालें. तें शिकपांत तिके पाटीं. आंतोनीक माडियांचें तोट आनी इल्ली वाल आसली. सांगाता जुलियानान मोग्री केल्ली आनी हांतुंच तांचें जीवन वेतालें. कषट आसल्यारी कुटमांत संतोस आसल्लो.

निम्मी बोव मोगाळ भुर्गें. शिकपांत चुरूक. खेळांत हुशार. नाच, गायान, नाटक, कोयर हरयेकांत तें चुरूक. फिर्गजेंत आनी इसकोलांत हरयेका चटुवटिकेंनी तें मुखार. मुखेलपण घेंवच्यांत तें हुशार. सारकें सांगचें जाल्यार 'ऑल रौंडर'. ह्याच कारणा खातीर निम्मी सकडांक मोगाचें आनी जाय जाल्लें भुर्गें. कोणायकी कुमकेचो हात दीवंक तें तयार. सोभायेची बावली निम्मी साबार चल्यांच्या काळजाची उडी चडयताली पूण कडक जाप दिंवच्या ताचेलागीं सांगोंक कोणाकी धयर नातल्लें. त्या पयकी कोयारांत गिटार वाजंवचो सिपरी एकलो. कोयरा वेळा तीं एकामेका लागीं उलयतालीं आनी ह्या वेळा सिपरी मतिंतच संतोस पावतालो. फावोतो वेळ येताना आपणाची खुशी ताका कळयतलों म्हण तो विश्वासान आसल्लो. सिपरी आतां डिग्री निमाण्या वर्सांत शिक्तालो.

'निम्मीन असलें मेट कित्या घेतलें? तळ्यांत उडोन मोर्चे तसली गत ताका कित्या आयली?' ताका जाप मेळ्ळिना.

पोलीस आयले. मोडें 'पोसटमोर्टम' करुंक वेलें. आंतोन आनी जुलियानाक सेजार्‍यांनी सांबाळ्ळें. निलिमाकयी आस्पत्रेक वेलें.

दूसर्‍या दिसा हजारों लोकाच्या हाज्रेंत मोर्नाची रीत संपली आनी निम्मी सासणाक दोळ्यांच्या दिषटी भायर जालें.

इसकोलांत निम्मीक शृध्धांजली अर्पिली. मुकेल मेसतीर्ण उलयताना गदगदीत जाली. सर्व भुर्गीं रडतालीं. निम्मी म्हळ्यार सर्वांक जीव. ताचे बरे गूण तिणे वाकणले आनी सासणीक विशेव मागलो. सक्कड भुर्ग्यांनी निम्मिच्या फोटोक फुलां अर्पिलीं..

'पोसटमोर्टम रिपोर्ट' जीवघात म्हण आयिल्ल्यान पोलिसांनी त्याच दिशेन तनकी केली. पूण कसलीच रुज्वात मेळ्ळिना. इसकोलांत, इगर्जेंत ताचे विशीं बरेंच आयकोंक मेळ्ळें आनी जीवघात कर्चे तसलें भुर्गें न्हय म्हण सर्वांनी सांगलें. पोलिसांनी गांवच्या तांच्या वळकिच्यां लागीं विचार केलो. कितेंच कुरू मेळ्ळिना.. निमाणे केज तितल्यारच रावली. केज मुकार वरुंक घर्च्यांनी खुशी वेलिना.

निलिमा आघातांतलें भायर येवंक कषटालें.. ताच्या जिवितांत आतां कांय संतोस नातल्लो. आपल्या भयणी सांगाता खर्चिल्ले ते

दीस नियाळन तें हुसकार्न हुसकार्न रडतालें. मधें मधें आकांतोन पडतालें. फिर्गज विगारान येवन वांजेल रजार केलें. ताका धयर दिलें. सिसटरांनी येवन ताका भुजयलें. कौन्सिलिंग केलें.

आंतोन आनी जुलियाना धुवेच्या वेगळाचारा वर्वीं कंगाल जाल्लीं. सेजार्‍यांनी तांकां सांगात दिलो. पूण कितलो तेंप अशेंच रांवचें? 'एक व दोन दीस मेल्ल्याक फावोतें रुदन कर आनी उपरांत तुजे खंतिंत तुका बुज्वण मेळतली' म्हण सिराखाचो ग्रंथ सांग्ता तशें सवकास तांच्या दिस्पडत्या वावराक लागलीं..

पूण गांवार मात्र नानांत्यो खबरो पाशार जाताल्यो. आतां वाटसप आसल्ल्यान दिसाक एकेक खबरो विवीध रितीन अलंकरून आसल्ल्यो..

संसार सगळो ताचाच राटावळीन व्यसत आसताना हेणे सिपरीक मात्र सार्की नीद पडानातल्ली. ताचें काळीज बोब मार्न सांग्तालेंकी निम्मीन जीवघात करुंक ना. जीवघात कर्चे तसली परिगत ताका भिल्कूल येवंक ना. धैराधीक भुर्गें. तर ताणे जीवघात करुंक तितल्या तुर्तान निर्धार कारण कितें? ना भिल्कूल साध्य ना! हांतूं कितें तरी शिरिगुंडी आसाच!

आपणे मोग केल्ली चली कसल्यागी अन्यायाक सांपडोन असहज मरण पावल्या. ताच्या अत्म्याक शांती मेळाजाय तर सत भायर येजाय! ताणे निर्धार केलो.

पत्तेदारी काणियो वाच्ची पिसाय आसल्ल्या सिपरीन आतां चिंतुंक सुरू केलें..

ताची मत परत तव्ळ्या कुशीं घुंवली. त्या दिसाचें पिंतूर ताणे दोव्ळ्यां मुकार हाडलें.. हां! एक घडी राव.. कितेंगी झळकालें ताका. त्या दिसा 'तव्ळ्यांत ऊडल्ल्या चेडवाक हांवें पळवन बचाव करुंक प्रयतन केलें.. पूण तें म्हाका मेळच्या भितर मरण पावल्लें..' म्हण पोलिसांक सांगल्ल्या त्या तर्नाट्याचेर सिपरिची नदर रावली..

'कोण हो तर्नाटो? हाका हाचा'दीं पळेल्लो उगडास ना..' सिपरी उठोन शीदा इष्टा जेरिगर गेलो..

तवळ सांज जाल्ली..

आवचीत घरा आयिल्ल्या सिपरीक पळवन जेरी प्रश्नार्थक दिषटीन ताका पळेलागलो.

कितें जालें सिपरी, अवचीत कितें पावलोय? ताणे विचारलें.

सिपरीन ताका गजाल कळयली.

जेरी हासलो. अरे सायबा तूं पिसो पुणी जावंक नांयमू? कूसल्लें उसतून गांव घाणंवची कांय आलोचनगी तुजी? फाल्या साकाळीं ताचो भितरलो घूट सगळो कळोन ताच्या बरया नांवाक करी पूसल्लेबरी जांवचिनांगी? एदोळच खंतीन बार्वोन गेल्ल्या कुटमाक पत्यान नालिसायेक वळग कर्चें कितलें सार्कें? विषय आतां सवकास पर्नो जावन येताना तुका कित्या मधें नाक रिगयजाय? हांतूं तुकाच नालिसाय येंवची आस्येत. पोलिसांनी व लोकांनी तुजेरच बदलाम कित्या घालुंक नजो? ही तुजी पिशी आलोचन सोड आनी तुजें शिकाप मुंदर्सी. हीच सलहा म्हजी. आनी उपरांती तूं मुकार वेशी जाल्यार तुजी खुशी. हांव खंचांती ना.. जेरीन हात धुले.

त्या तर्नाट्या विषयांत समजोन घेवंक सिपरीन चत्रायेन प्रयतन केलें. कांय फायदो जालोना. सत सांगचें तर कोणेंय त्या दिसा ताका चड गुमन दिल्लेंना.. बहुषा निम्मी वांचल्लें तर तो हीरो जातो आसलो.. पूण ना.. मोडें पोसटमार्टमाक वर्ताना, पोलिसां सांगाता तोय गेल्लो.. उपरांत कोणी ताका पळेल्लोना..

असल्यो संगती घडोन्च आसतात आनी लोक एक दोन दीस उलयता आनी उपरांत विस्राता.. हाचे विषीं चिंतुंक कोणाक पुर्सत आसा म्हण जायजे नैंगी.. तांकां तांकां तांचीं तांची राटावळ! संसार मुकार वचाजेच.

पूण सिपरी वगो रावलोना. आपूण सत सोदून काडतलोंच म्हण ताणे निर्धार केलो.

एका आयतारा तो निम्मिच्या घरा पावलो.

घरांत आजून काळोकच आसल्लेबरी ताका भगलें.. आंतोन हितलाक गेल्लो. जुलियाना कुजनांत आसल्ली. निलिमा ताच्या इषटिणेक मेळोन वेतां म्हण गेल्लें घरा नातल्लें. जुलियाना बाये लागीं दोन उत्रां उलवन सिपरी शीदा आंतोनामा सर्शी आयलो.

थोड्यो गजाली अदली बदली जातच सिपरी विषयाक आयलो.

आंतोन माम, हांव विचार्तां म्हण बेजार करिनाका.. तुज्या धुवे निम्मी विषयांत तुजी अभिपराय कितें?

आंतोनाम गळगव्ळ्यां रडलो. सिपरीन ताका भुजयलें.

अळे पुता, भांगार भुर्गें तें. ताका जीवघात कर्ची कितें गत आयली म्हण म्हाका समजाना..

वय मामा, म्हाकायी तेंच सवाल दोसता. हांव ताका बरो वळकतां जाल्ल्यान ह्या विषीं कितेंगी दुबाव मार्ता. सिपरीन आपली भोगणा उचारलीं.

म्हव्ळ्यार? आंतोन प्रश्नार्थक दिषठीन पळेलागलो.

निम्मीक कोणी चेड्यां थावन कांय दोशी पुणी आसल्ल्योगी?

तसलें कांय आसल्लें जाल्यार तें आमचे लागीं सांग्तें आसल्लें किल्या म्हळ्यार तें खंचीच संगत आमचे थावन लिपयनातल्लें. निलिमा तरी वगे रावात पूण हें तशें न्हय. आंतोनामान स्वष्ठ सांगलें.

निम्मी तळ्यांत ऊडल्ल्या वेळार तुमी खंय आसल्ल्यात? सिपरीन आफ्लें पत्तेदारी काम चालू केलें.

हांव पंचायत आफिसाक गेल्लों आनी जुलियाना पेंटेक गेल्ली. निलिमाक टैलरिंग क्लास ना म्हण घराच आसल्लें.

तर निम्मी इसकोलाक गेल्लें.

व्हय! इसकोलाक गेल्लें निम्मी तर तळ्यांत कशें पडलें? निलिमा घराच आसल्लें नैंगी? ताका किल्या खबर ना? सिपरिचो दुबाव बळ जावन येतालो.

त्या दिसा इसकोलांत कोण एकलें भुर्गें पिडेन मरण पावल्ल्यान इसकोलांत श्रृद्धांजली अर्पूण भुर्ग्यांक रजा दिल्ली खंय. देकून निम्मी घरा आयिल्लें आनी इल्ल्या वेळान हितलाक वचोन येतां म्हण सांगोन गेल्लें म्हण निलिमान सांगलां.

बरें, निम्मी तळ्यांत ऊडल्ली खबर तुमकां कोणे दिली?

निलिमान फोन कर्न वेगीं घरा ये म्हण मात्र सांगलें आनी हांव तुर्तान येवन पावलों. इल्ल्या वेळान म्हजी येज्मान आयली.. आमी येंवच्या भितर सगळें जावन गेल्लें.. परत सुसकार!

निम्मी आनी निलिमा मधें कांय मनसताप पुणी आसल्लोगी?

तशें कांय नां. तीं एकामेका बरया मोगान आसल्लीं. पाप आतां निलिमा सगळें कंगाल जावन गेलां.

त्या दिसा एक तर्नाटो आसल्लो नैंगी, आपणें ताका बचाव करुंक पळेलें म्हण पोलिसांक सांगल्लो. तो कोण म्हण तुका कळीत आसागी

पुता त्या दिसा म्हज्या दोळ्यांक काळोक मात्र दिसतालो.. हांवें कोणाकी पळेल्लोना.. बहुषा हेणेंचो कोण तेणेंतल्यान पाशार जातालो आसतलो.. पाप बावडो म्हज्या धुवेक बचाव करुंक ताणे केल्लें प्रयतन निर्फळ जालें..

तुवें सांगचें एका वाटेन सार्कें.. पूण त्याच तर्नाट्यान तुजे धुवेक अपाय किल्या करुंक नजो?

कितें उलयताय पुता तूं? हें कशें साद्य?

तेंच सवाल म्हाका धोसून आसा मामा.. हाची जाप सोधून काडुंक हांव प्रयतन करून आसां किल्या म्हळ्यार निम्मीन जीवघात करुंक साध्यच ना.

मौन!

त्या दिसा निलिमा घरा आसल्लें आनी ताका खंडीत कितें पुणी कळीत आसतलेंच सिपरीन सांग्ताना आंतोनामाकी व्हय म्हण भोगलें.

पूण तें आतां घरा ना, ताच्या इषटिणेगर वचोन येतां म्हण गेलां.

दनपारां जेवणाक येतेलें मू? हांव तेदोळ परयांत रावतां. म्हाका खंय पुणी इल्लोसो उज्वाड मेळ्ळ्यार पुरो. मागीर पोलिसांक तिळसून मुकलें मेट घेव्येत. कितें म्हणताय मामा? सिपरीन विचारलें.

सगळें देव जाणा. एदोळच आमी नालिसाय भोगून जाल्या. आनी पर्त्यान नालिसाय भोगुंक म्हाका नाका. तरी तुज्या वत्तायेक लागोन निलिमा लागीं विचारयां. पूण गजाल मुकार वरुंक म्हाका खुशिना. म्हजी धूव कांय आनी म्हाका पाटीं मेळाना. आंतोन सुसकारलो.

तुवें सांगच्यांत राजांव आसा. पूण एका निरापराधी चल्येक असो काळो तिबो मेळचो कितलो सार्को? ताचें नांव पाड जावंक म्हाका खुशिना मामा.. सिपरिचो ताळोयी गदगदीत जालो.

दनपार जाताना निलिमा आयलें.

ताच्या तोंडार त्यो पयलेंच्यो हासो नातल्ल्यो. दोळे भितर गेल्ले.

आंतोनामान पयलें जेव्यां मागीर उलव्यां म्हण सिपरीक हिशारो दिलो. तशें दनपारांचें जेवण तिर्सांताच सकडां सोप्यार बसलीं. आंतोनामान गजाल तिळसिली.

निम्मिचें नांव काडतच जुलियाना पर्त्यान कसकसोन रडली. निलिमाचें मुखामळ आनिकी भावलें.

'हा देव किल्या इतलो कठोर जालो!' सिपरी मतिंच उदघारलो.

बरें, निलिमा, त्या दिसा कितें जालें म्हण तिक्के सांगोंक जायतगी?

दाट्टू, कितें जालें तें म्हाका कळीत ना. हांव भितर रांदपा कूडांत आसल्लीं. निम्मी आपूण भायर हितलांत भंवोन येतां म्हण सांगोन गेल्लें. इल्ल्या वेळान एक तर्नाटो येवन म्हाका गजाल सांगिलागलो आनी हांवें तक्षणा ड्याडीक कळयलें. इतलेंच मागीर

कितें जालें तें म्हाका कळीत ना. म्हाका मत चूकल्ली. निलिमान एका दम्मान सांगलें.

निलिमा उलयताना सिपरी ताकाच पळवन आसल्लो.

त्या तर्नाट्याक हाच्या'दीं तुवें पळेल्लो आसागी? तुका ताची वळक पुणी आसागी?

ना दाट्टू, हांवे ताका पयले पावटीं पळंवचो.

तें उलवन आसतां आसतां दोन पावटीं ताचें मोबायल वाजलें. पूण निलिमान रिसीव केलेंना. परत तिस्रे पावटीं वाजताना सिपरीन ताका सांगलें काणघेवंक.

तें म्हज्या फ्रेंडाचें आसों. म्हण तें वगें रावलें. सिपरीक निलिमाच्या वदनार कितेंगी भ्यें राज कर्चे दिसतालें.

निम्मीन तुजेलागीं केदाळाय ताच्यो घुटाच्यो संग्ती पुणी सांगल्यो आसातगी? जीवघाताविषीं कांय उलयिल्लें पुणिगी?

निलिमान उलवंक तोंड उघडताना फोन पर्त्यान आवाजलें. जुलियानान फोन घेतलें आनी भितर गेली.

निलिमा चडपडोंक लागलें.

म्हजेलागीं तशें ताणे कांय सांगोंक ना दाट्टू.. निलिमा पाद्देवनशें सांगताना जुलियाना भायर आयली.

कोणगो हो नापास चेडो? तिच्या धेंकण्याक एक घडी सकडां उबीं रावलीं.

जुलियानान फोन रिसीव कर्न उलंवच्या फुडेंच सदांच्या सवयेन तो तर्नाटो उलवंन्च गेल्लो. लोव ताळ्यान ताका दुबाव जायनातले बरी 'तुका मागीर फोन कर्तां' म्हण सांगोन ती भायर आयिल्ली!

तिच्या त्या एकाच धेंकण्याक निलिमा कोसाळ्ळें. इतले दीस आपल्या काळजांत दामून दवर्न भोगचे आटेविटे सगळे भायर आयले. तेणे सिपरी दाट्टुयी आसा म्हण ताका इल्लें धयर मेळ्ळें. आपणे आनी कितलो तेंप असें कषटोन मोर्चें म्हण चिंतून ताणे तोंड उघडलें..

टैलरिंग क्लासीक वेच्या निलिमाक अचानक एका चेड्याची वळक जाल्ली. ही वळक मोगांत बदल्ली. तो कोण कितें म्हण हाणे समजोंक प्रयतन केलेंना व ही गजाल घरा कोणाकी कळयलिना. फोनार केदाळाय तांच्यो मोगाच्यो गजाली जाताल्यो.

त्या दिसा घरा कोणी नांत म्हण कळोन तो आयिल्लो. हेणे इसकोलाक रजा दिल्ल्यान निम्मी वेगीं घरा पावल्लें. घराचें दार आड केल्लें. भितर वेताना निलिमा दिसलेंना. वसतूर बदलून बायेक सोदून निम्मी हितलाक गेलें.. सोधून सोधून हितलाच्या बगलेन आसल्ल्या तळ्या लागीं पावताना ताचें बाय दिसलें.

एक घडी तें थटक जालें! थंयसर एक तर्नाटो ताच्या बायेक पोटलून धर्न आसल्लो. आनी ताचें बाय ताचे थावन सुटोंक प्रयतन कर्तालें.

आय्यो बाये, हो कोण चेडो तुका दोसता हांगा? निम्मी बायेक बचाव करुंक गेलें.

निम्मीक पळवन दोगांय घडबडलीं. निलिमा ताच्या वेंगेंतलें सुटलें. निम्मी त्या तर्नाट्या मुकार रावलें. आपणे शीकल्ल्या कराटेचो एक पंच ताच्या मुसकाराक पडताना तर्नाटो आड पडलो.

निम्मी, पुरो.. आमी घरा या.. निलिमान ताका आपयलें. तें भियान सगळेंच कांप्तालें.

बाये, तूं वगे राव. पयलें हाका बूद शिकवन पोलिसांच्या हातीं दिव्यां. म्हण सांगोन परत त्या तर्नाट्याक मारुंक वेताना, ताणे पडल्लेकडे थावन्च निम्मिचो पाय वोडलो. ह्या वेळा ब्यालेन्स चूकल्लें निम्मी तळ्यांत पडलें.

तें पडल्लेकडे केद आसल्ल्यान तें शीदा भितर रोंबलें आनी हाणी पळवन आसल्लेबरी उदकांत बुडोन गेलें.

गजाल सांग्तां सांग्तां निलिमाक मत चुकली.. सिपरीन ताका सांबाळ्ळें.

आंतोन आनी जुलियाना तकलेक हात दवर्न बसल्लीं!

नालिसाय तांच्या बागलार पर्त्यान उबी जावन हासताली..

एका अपरिचीत चल्याच्या मोगार पडोन निलिमान नालिसाय ताच्या कुटमाचेर मागोन काणगेल्ली!

उपरांतली काणी पोलिसांनी मुकारून वेली..

सिपरीक ताच्या प्रयत्नांत जैत मेळ्ळें. आपणाचें निम्मी निषकळंक म्हण ताणे रुजू करून दाखयिल्लें.

निम्मिच्या फोंडार एक गुलोब दवर्न, 'निम्मी हांव तुजो मोग करतां. तूं सासणाक म्हज्या काळजांत उरतलेंय. देवा राजांत सासण सूख तुका लाभों' अशें मागोन दोळ्यांनी देंवल्लीं दुकां पुसून सिपरी आपल्या घराकुशीन परतलो .

संतृप्तेन वा ..?

## घर पोंवते असा

(लारेन्स वी. बारबोजा, म्यांचेसटर,यू.के.)



घर बाधुंक.... घर सोडलें
एक्सुरो घोळोन, चिल्लर जमवन
स्वपणां चित्रांक सागांता घालन
भांदलें. 'व्हड घर'.
पळे..... पोंवता म्हजे घर.

भुर्गीं जालीं उभुंक तयार
प्रकृतेचे नियम हें
घर्चीं कुडां खेळतात अपालिपा
पर्तून एक्सूरपण भरल्ल्या घरांत
पळे..... पोंवता म्हजे घर.

टिवी, ल्यापटोप, स्मार्ट फोन
उलयतात एकामेका
पाक्यार चडल्यारी.. दिसानांत अमचीं
घरा ये, दोन सब्द उलव्यां
पळे..... पोंवता म्हजे घर.

एक पत्र, सभारांचे दोळे
हासोन खेळोन भांदल्ले कळे
सकाळिंची पेज, इंगळ्यांत भाजल्ली कणगी
सुंदर जेवणा मेजार, एक्सूरयो यादी
पळे..... पोंवता म्हजे घर.

सूऱ्यो, दऱ्यो, वारें, माती
तशीच दिसता
शिकप, बुध्वंत्काय, चिंतप, धयरान
बदलिला संतुलन? मधें दिसता अहंभाव!
असोचगी हो संसार?
धोसतात असलीं एक्सुरीं सवालां

तोवता म्हजें काळीज
घरा ये, दोन सब्द उलव्यां
पळे..... पोंवता म्हजे घर !

---

## कर्म (चेतन कापुजीन)

२०२० इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तेंत तिसरें इनाम जोडलली कथा



मोबायलाच्या आवाजाक जाग जाल्ल्या अविनाशाक रिसट वोच फांत्याचीं साडे-चार दाकयतालें. 'इतल्या फांत्यार कोणाचें फोन आसत? मांय कांय...' ताच्या काळजान उडियेंचो वेग चडयलो. ताची आवय केन्सर पिडेच्या निमाण्या हंतार आसल्ली.

हलो...

हलो, अण्णा, हांव रेणुका उलयतां, तुका इतले फांत्यार धोसल्ल्याक माफ कर. ताव्याची ताका व्हळक मेळ्ळी. यशोद अम्माचें धूव रेणुका. ताच्या ताळ्यांतली कावजेणी अविनाशाच्या गुमानाक येनासतां रावली ना.

अण्णा, अम्माची भलायकी चड बरी ना. आस्पत्रेथावन पाटीं घरा हाडन तीन दीस जाले. रेणुकाचो ताळो रडकुरो जाल्लो. अम्मा तुका पळयजे म्हणता अण्णा, रेणुका रडलेंच.

अविनाशाची नीद पूरती सूटल्ली. ताची तूं कांय भियेनाका रेणू, हांव येतां... दनपारां पयलें येवन पावतां अविनाशान मतिंतच्च वेळाचें लेक घालें.

... रेणुकाची आवय यशोद अम्म अविनाशाक जल्म दिल्ली आवय न्हय तरी, मोग दीवन जतन घेतल्ली आवय. अविनाशाक जल्म दिल्ले आवयक ताच्ये सांगाता रावोन जतन घेंवची लक्सुरी नातल्ली. एका दिसाचें काम चुकल्यार एक दीस उपवासीं रावजे पडतालें. त्या वेळार सेजारची यशोद अम्म ताची आवय जाल्ली. तिकाय ल्हान भुर्गीं आसल्लीं तरयी, अविनाशाक तिच्या भुर्ग्यापरिंच तिणे वागयिल्लें. अविनाश आट वरसांचो आसताना, ताचें कुटम साटली पोटली घेवन हासन लागशिले हळ्ळेक भायर सरताना, अविनाशान यशोद 'अम्मासंगिंच रावतां' म्हण सळ केल्लें...

उपरांत वरसाक दोन वरसांक एक पावटीं यशोद अम्माची भेट करून आसल्लो अविनाश, सुर्वेर आपले आवयसंगीं वेतालो; कोलेजीक पावल्ल्या उपरांत एक्सुरोच्च वेतालो. यशोद अम्माचो घरकार तांदळाच्या मिल्लांत गोणियो व्हावंवचें काम करतालो. घरांत दुबळिकाय आसली तरी, यशोद अम्मान आवयपणाच्या देण्याक तिरसकार दाकवंक ना. चवगां भुर्ग्यांक तिणे जल्म दिल्लो, निमाणें रेणुका...

आयलेवारच्या वरसांनी यशोद अम्माक भेट दीवंक जायनातल्या वेळार अविनाश फोन करन तिचेलागीं उलयतालो. फोन करतना तिचेसंगीं आसचें निमाणें धूव रेणुका आवयलागचें फोन घेवन, कसो आसाय अण्णा, म्हाका पळेवंक केदळा येताय? म्हण विचारतालें. आपूण उंचल्या शिकपाखातीर लंडन वेची खबर यशोद अम्माक कळयताना, आयकून तिणे सुसकारन पालवा पोंतान नाक पीळल्लें अविनाशाच्या सूक्ष्म कानांक आयकल्लें.

लंडनथावन आपरूप फोन करन तिचेलागीं तो उलयतालो. ती आयकताली मात्र. बरें करन शिकोन वेगीं ये पुता म्हणोंक विसरनातल्ली.

लंडनांत शिकाप आकेर करन गांवाक पाटीं भायर सरच्या आदल्या दिसा अविनाशान तिका फोन करन कळयिल्लें. तुका पळेवंक आशा जाता पुता, वेगीं ये तिणे असकत ताळ्यान सांगल्लें आयकून अविनाशाचो गळो भरून आयिल्लो.

गांवाक पावल्या उपरांत सयरीं-धयरीं, नव्यान अरंभ केल्ल्या कामाच्चे राटावळेमधें अविनाशाक यशोद अम्माची विसरच्च पडल्ली. संसार विस्रशें करची श्याती राटावळिंक आसा. अविनाश सगळें विस्रोन आपलो फुडार उभो करच्यार पडल्लो...

***

यशोद अम्माचें घर खंय? अविनाशान काराचो आरसो सकला देंववन बगलेन चलोन वेच्या वाटसूरयालागीं विचारलें. गांवाचें बदलल्लें रूप पळेवन यशोद अम्माक पळेवंक येनासतां सबार वरसां पाशार जालीं म्हळ्ळें ताच्या गुमानाक आयलें. यशोद अम्माच्या घरची दिशा सोधुंक तो कषटालो.

कोण यशोद, ती अपशकुनांची म्हातारी? शीदा वचून उज्व्याक धुंव तिरसकाराची जाप उडवन वाटसुरी चल्लो. 'यशोद अम्माक प्राय साट उतरलीं. पूण... ती अपशकुनांची म्हण कित्याक म्हळें?' ताचें काळीज नासम्मतेन दोडलें.

वाटसूरयान सांगल्लेबरिच्च मुकार वचून अविनाशान कार एका परन्या घरा मुकार रावयलें. इतले वेगीं ताची निरीक्षा करुंक नातल्ली जायजे, घराभायर कोणच्च नातल्लीं. अविनाश घरचीं मेटां चडतना मुकार मेळल्लें रेणुका, अम्मा... अवी अण्णा आयला म्हण भितर धांवलें. रेणुकाचो पाटलाव करन अविनाश बगलेच्या कुडांत रिगलो.

रेणुका खटल्या बगलेन उभें आसल्लें. खटल्यार नीदल्ली यशोद अम्म उटोन बसुंक प्रेतन करतना, अविनाश तिका आधारसुंक आम्सरलो. आयलोयगी पुता... तुकाच्च राकून आसल्लीं ती पिस्पिसली. आपणा सर्शीन खटल्याच्या बसल्ल्या अविनाशाचें तोंड आपल्या दोनी हातांनी पोशेवन यशोद अम्मान आपले हात कान्सुलाक व्हरन निट्टयो काडुंक प्रेतन केलें. असकत्कायेन निट्टयो सुटल्यो नांत.

रेणू...अण्णाक एक घोट च्या करन दीनांय? आवयच्या उत्राक रेणुका, अण्णा, तूं अम्मालागीं उलय...हांव दूध हाडन येतां म्हण सांगोन चल्लें. च्या करच्याकी, आवयक अविनाशालागीं उलवंक एकांत लाबंवचो इरादो रेणुकाचो.

अम्मा, आतां कशी आसा तुजी भलायकी? घरांत कोणयी दिसनांत? भुर्गीं तुका पळेवंक येवंक नांत? अविनाशान सवालांचो दाळोच्च सोडयलो.

म्हाका कितें जालां पुता? म्हाका कसलिच्च पिडा ना म्हणतात दाक्तेर. आस्पत्रेंत रावोन फायदो ना म्हण पोयरच्च घरा धाडलें. तरी... यशोद अम्मान रावयलें.

तरी कितें अम्मा? तुंवें उटजे, कुटमाक आनी भुर्ग्यांक तुजी गर्ज आसा. अविनाशान समजयलें.

खंचें कुटम पुता, खंचीं भुर्गीं...? कोणी नांत तिणे दोनी हातांनी 'ना' म्हण संज्ञा केली. व्हड जातच्च तिच्या भुर्ग्यांनी तिचो हात सोडलो जायजे. पाटल्या वरसांनी यशोद अम्माच्या कुटमाविशीं चडीत जाणा जावंक नातल्याक तो चुर्चुरलो. तरी, ह्ये घड्ये ती चरित्रा उसतून तिका बेजार करुंक ताचें मन आयकलेंना.

हांव आसांने अम्मा... तूं कांय भियेनाका अविनाशान तिका आरायलें.

सक्कड म्हाका अपशकुनांची म्हातारी म्हणतात; कुटम देस्वाट केल्ली, घरकाराक आनी भुर्ग्यांक हांवेंच लगाड काडलें म्हणतात... यशोद अम्म व्हडल्यान रडली.

कितें म्हणताय अम्मा तूं...? अविनाश घुस्पडल्लो. कित्याक अम्मा कित्याक?

यशोद अम्मा अविनाशाच्ये वेंगेंतली सुटोन खटल्याक वोणकाली...

... यशोद अम्माच्या भुर्ग्यांपयकी मालघडो नागेश काजार जावन बायलेसंगीं बोंबंयत ठीकल्लो. दुस्रें परिमळ हाका चीकमगळूर काजार करन दिल्लें. तिस्रो अशोक घराच्च रावोन मिल्लांत बापयसंगीं कामाक लागल्लो. निमाणें रेणुका हैसकूल शिकाप शिक्तालें. दीस कषटांनी तरी समाधानान पाशार जाताले.

तांदळाच्या मिल्लांत काम करचो यशोद अम्माचो घरकार, मिल्लांत दाळन दवरल्ल्यो तांदळाच्यो गोणियो निस्रोन ताचेर पडतना, व्हजनापंदा उस्वास बांधून निर्जीव जाल्लो. ताच्या

आवचीत मरणान कुटमाचो आधार चूकल्ल्या यशोद अम्मान कुटमाच्या व्हजनाक खांद मारल्लो. घरकाराच्या मर्णाची खबर अविनाशाक दीवंक ती आम्सरली तरी, 'लंडनांत तो शिकोंक गेला. ताका धोसचें नाका' चिंतलें तिणे. अविनाश तिका फोन करतानायी तिणे ही 'वायट' खबर ताका कळयलिच्च ना.

पतिवृता जावन मोरचें भाग समेसतांक मेळना. ताका आदल्या जल्माचें पून गर्ज. जातकांत ऊण आसल्यार अशें घडता. बायलेच्या दोळ्यां मुकार घोवान मरण पांवचें दुर्भागपण कोणाकच्च येंवचें नाका हाबा... व्हळकिच्या दोगां-तेगां स्त्रीयांनी उलयिल्लें आयकून यशोद अम्माचें मन दूकल्लें. 'म्हाका कित्याक असलें दुर्भागपण देवा?' तिणे मोळबाक दीषट उबारल्ली.

म्हालघडो पूत नागेश पतीण आनी भुर्ग्यासवें बोंबय सांताक्रूजांत बाड्याच्ये कोट्रेंत जियेतालो. 'बिस्नेस कर्तां' म्हणतालो. फकत्त पियुसी जावन बोंबय पावल्लो तो शाणो आसलो. डीसेल होलसेलार घेवन विक्तालो. मुनाफोयी बरो आसल्लो. ताचें बायल मनीष मरजेचें चेडूं. 'समाजिंत मरजेन जियेजे; चार चवगांसंगीं भरसजे' म्हण आशेतालें जाल्ल्यान, नागेशान जोडल्ले पयशे खिणान खिरोन वेताले; नागेश रिणांत पडल्लो. रीण दिल्ले ताच्ये पाटीक पडल्ले.

त्ये सांजेर आयिल्ले दोन जण नागेशालागीं लडायेकच्च देंवलें. उलोणें रात परयांत लांबलें. भितरल्या कुडांत आसल्लें मनीष हांचें उलोणें आकेर जावंक नासोसणिकायेन राक्तालें. तुमचें उलोणें केदळा आकेर जांवचें? म्हण भितरथावनच्च बोबाटल्लें. बायलेच्या सवालाक वीरयार जाल्लो नागेश खेंवचाल्लो: तुका आम्सोर जाता तर, निदे. म्हाका धोशिनाका नागेशाक राकनासतां, मनीष भुर्ग्यासंगीं जेवन नीदल्लें.

फांत्यार जाग जातना, बगलेक नागेश नातल्लो मनीषाच्या गुमानाक येतना, 'ह्या फांत्यार हो खंय गेलो?' म्हण चिंतित्त भितरल्या कुडाथावन भायर मेट दवरल्ल्या मनीषान तोंडाक हात आड धरन किंक्राट मारल्ली..

... कुडाच्या सीलिंग फेनाथावन बायरासाच्या आधारार नागेशाची निर्जीव कूड उमकाळ्ताली...

पोलीस आयले, मनीषाचो आनी सेजारी दोग-चार जणांचो विचार केलो, 'अस्वाभावीक मरण' म्हळ्ळो शरो बरवन कूड आस्पत्रेक धाडन दिली. सांजेर आस्पत्रेथावन पाटीं आयिल्ली नागेशाची कूड सेजारयांच्ये कुमकेन हुल्पायली.

घोवाक लगाड काडलें... आतां पूतयी जीवघात करून मेलो...आनी कितें सरव अपशकून राकून आसागी हिका...? सेजारच्यो जिबो नियंत्रण नासतां हुळवुळ्ळ्यो. सक्कड पाटल्या जल्माचें कर्म...तें पाट सोडताये तर...? कितें सरव अन्नाडपण केल्लेंगी? सबारांनी फयसल वाचल्लें.

यशोद अम्म जीब कातरन काडल्लेभाषेन मोनी जाल्ली. पाटापाट मारल्ल्या दोन घडघड्यांनी तिचें धयरच्च पीळन काडल्लें. मुकल्या एकाच्च वरसाभितर चिंतिनातल्ले कुशिथावन तिचेर आक्रमण चल्लें.

परिमळाचो घोव चीकमगळुरांत एका काफये तोटांत रैटर जावनासल्लो. सावकारान दिल्ल्या घरांत तीं वसती करतालीं. काजार जावन तीन वरसां उपरांत परिमळ गरबेसत आसल्ली खबर नर्सिंग होमाच्ये दाक्तेरनीन दितना, परिमळाक सर्गाक हात लायिल्लेतितलो संतोस जाल्लो. पूण उपरांत दाक्तेरनीन सांगल्लीं उत्रां परिमळ आनी ताच्या घोवाक धखो दीवंक सकल्लीं: ही एक एकटोपीक प्रेग्नेन्सी. पिंपरें गरबांत बसुंक ना, फेलोपियेन नळियेंत बसलां.

प्रेग्नेन्सी चड तेंप उरवंक जायना, पिंपरें काडिना तर, नळी फुटोन आवयच्या जिवाक बाधक आसा दाक्तेरिनचीं उत्रां आयकून परिमळ पाताळाक शेवटाल्लें. दोळ्यां खांचिंतलीं दुकां पुसून परिमळाच्या घोवान हात जोडल्ले: परिमळाचो जीव वांचया डोकटर.

मुकल्या हफ्त्यांत नर्सिंग होमाच्या ओपरेशन थियेटराक गेल्लें परिमळ तीन दिसां उपरांत निर्जीव कूड जावन भायर आयलें. परिमळाच्ये एकटोपीक प्रेग्नेन्सीन ताचो जीवयी चिंवल्लो...

यशोद अम्माचो धाकटो पूत अशोक अट्रा-वीस वरसांचो तरनाटो बापायच्या मरणा उपरांत घराक आधार जाल्लो. दीस-रात मिल्लांत काम करतालो. पाटल्या एक-दोन वरसांथावन सोरो पियेवंक शीकल्लो. रातीं घरा येतना, मेटां सांबाळुंक कषटातालो. आतां घरांत बापय नातल्ल्यान, आपूणच्च घरचो येज्मान म्हण लेकून आवयन कितेंय सांगल्यार चिल्लून उडयतालो. आसल्ल्यांक मुक्कून खावन आतां म्हाका बूध सांग्ता... सोरयाच्या आमालार एक-दोन पावटीं अशोकान घुणघुणलेलीं उत्रां यशोद अम्माच्या कानांक पडनासतां गेलिंनांत.

परिमळ मरण पावोन चार महिन्यां उपरांतले एके रातीं अशोक घरा येतना, वोरां रातिचीं धा उतरल्लीं. हरशेंच्याकी आज चडीत पियेल्लो. येताना, रसत्यार पडोन वसतुराक थंय-हांगा माती लागल्ली. हात पांय धुवन येरे, जेवाण वाडतां यशोद अम्माच्या उत्रांक, तुजें जेवाण तुंच जेव, म्हाका नाका जाप आयली. 'होटेलांत कितेंय खावन आयला आसतलो' चिंतलें यशोद आम्मान. मुकल्या कुडांतल्या बांकार आड पडोन घड्येन घोरेवंक लागलो अशोक. यशोद अम्मा बगलेच्या कुडांत रेणुकाच्ये बगलेन आड पडली.

कितलें पियेवन निदल्यारी, सकाळीं स वोरां आदीं उटची सवय अशोकाची. सकाळिंच्या नाषट्याक पानपाळे बाजच्या यशोद अम्माक सालाच्या गडियाळार वोरां साडे-स वाजल्लीं आयकलें. 'कित्याक आनिकी उटोंक ना?' म्हण चिंतून दोन पावटीं उलो केलें. ऊटरे, वोरां साडे-स जालीं म्हण अशोकान पांग्रल्ली वोल तिणे वोडली. उटचें लक्षण दाकयनातल्ल्या अशोकाच्या पोल्याक हळू तापडलें... विजेचो शोक मारल्लेपरीं तिणे हात पाटीं काडलो... अशोकाची कूड बरफाभाषेन थंड जाल्ली...

तर्नाट्याचें अस्वाभावीक मरण जाल्ल्यान पोसट मोर्तेम केल्ल्या दाक्तेरान 'मीत मीरवोन आमाल सेवल्ल्यान, रातीं डी-हैड्रेशन जावन जीव गेला' म्हण शरो लिकलो.

यशोद आम्माक मोळाबच्च तकलेर पडल्लेबरी जाल्लें. घडल्लें तें हकीकत म्हण व्हळकून घेवंक तिका नाकासलें. फकत्त चार वरसांच्ये आवदेंत घरकार आनी तेगां भुर्गीं मरण पावल्लीं. आतां तिचीं म्हण उरुल्लें रेणुका मात्र. हो धखो चिंवून घेवंक सकनासतां ती कषटाली.

हाच्येशिवाय, सेजारच्या लोकान तिका पळेंवची दीषट संपूर्ण बदल्ली. तिणे दिस्पडतें घर कामाक वेच्या सावकाराच्ये बायलेन 'घरचें काम आमिच्च करतांव, तुंवें येंवची गरज ना' म्हण तिका एदोळच्च रजा दिल्ली. अशें अशोकाच्या मरणा उपरांत घर खरचाक तिका मेळोन आसल्ले थोडे पयशेय चुकले. आतां'तां तिच्या घराक चुकोनयी कोणयी भेट दीनातलीं. ती गर्जेन पेंटेक गेल्यार पाटीं येवन कसकसोन रडताली. लोकाचीं उत्रां तिच्या कानांक सळसळें शिसें कशें पडतालीं.

ह्योच परिगतिंत ती मांद्रेक शेवटाली. तिचें उलोणें उणें जालें. पूण तिच्या दोळ्यां खांचिंनी शेळ चुकनातली. रेणुकान गळ्यांतली चेयन विकून तिका आस्पत्रेक भरती केल्लें. तिची तपासणी केल्ल्या दाक्तेरान 'अम्मा, तुका कसलिच्च पिडा ना, असकत्कायेक थोडें घटायेचें खाण घे म्हण तिका एकाच्च हफ्त्यान डिसचारज केल्लें.

यशोद अम्मा दोळ्यां खांचिंनी दुकां भरून, नीदल्लेकडेथावन रेणुकाचेर बिर्मतिची दीषट घाल्ताली. तिच्ये वोंट हळू अस्पषट आवाजान हाल्ताले. मोज्या दोळ्यां मुकारच्च मोजो घरकार... मोजीं भुर्गीं... परिमळ.. नागू.. आशू... रेणुकाक तिची परिगत समजताली. अम्मा, तूं वोगेच्च निदे म्हण समाधान करतालें.

पाटल्या दोन दिसांथावन तिच्या वोंटार आसल्लीं फकत्त हीं उत्रां: म्हाका अवीक पळयजे... हांव मोर्चेपयलें आवीक आपय रेणू. निमाणें रेणुकान अविनाशाक फोन केल्लें...

***

यशोद अम्मा बोव थकल्ली. बगलेन आसल्ल्या तांबलेराकुशीन तिणे बोट जोक्ताना, तो घेवन तिच्या वोंटांक लागयलो अविनाशान. दोन ल्हान घोट पियेल्ल्या तिणे तकली हालयली. उपरांत वोणकाल्लेथंय थावनच्च ल्हान भुर्ग्यान 'म्हाका उकल' म्हणच्या जिन्सार तिणे दोनी हात उसयले. अविनाशान तिका आरावन धरलें. तिचो हून श्वास अविनाशाच्या कानाक लाग्तालो

सकडाक कारण हांव... मोज्या घरकाराच्या मोरनाक, मोज्या भूरग्यांच्या, नागुच्या, आशुच्या, परिमळाच्या मर्णाक हांव कारण... मोजो पांयाचो गूण सारको ना... मोजो जातक बरो ना... हांव अपशकुनांचीं... हाका सरव कारण मोजें कर्म... आदल्या जल्मांत हांवें केल्लें वायट... हो सर्व मोज्या कर्मांचो फळ... अशें म्हणतात पुता सक्कड... ती पुस्पुसली. तिच्या दोळ्यांथावन दुकां अविनाशाच्या खांदार पडून ताचें शरट बिजयलागलीं.

अविनाशान तिका आपणाथावन मेकळी करन खटल्याक वोणकोन निदायलें. तिच्ये दोळे निरीक्षणेन आनी असकत आशेन उजळताले. तिणे हळू मुंदरिलें. पाटल्या वरसांनी लोकाचें आयकून मोजे कान मेल्यात... रडोन मोजे दोळे सुकल्यात... आवी, तूं सांग पुता, हांवें मोज्या घरकाराची जतन करुंक ना? हांवें मोज्या भुर्ग्यांचो मोग करुंक ना? तांकां हांवें लगाड काडलें म्हण लोक बोट जोक्तना, म्हाका शिराप माग्तना हांव कशें सोसून व्हरूं...? हांवें करिनातल्ले चुकीक देव म्हाका शिक्षा दीतगी पुता...?

यशोद अम्मान आपणाभितर आसल्ल्या उज्या परवताची दाव भायर सोडल्ली. वर्सांथावन गुप्तीं जिरयिल्ली कोडसाण उचारल्ली. कठीण थकावटेन तिणे दोळे धांपले.

तिणे आपणाक उटाउटीं आपयिल्ल्याचो मतलभ अविनाश समजल्लो. आतां आयिल्ली ती घडी यशोद अम्मान दिल्लो आवयसारको मोग तिका पाटीं दिंवचो. तिचेलागीं सरून, आपलो हात तिच्या पिक्या केसांमधें ताणे भोंवडायलो. तिच्या दोळ्यांथावन पोल्यांचेर देंवोन सुकोंक कषटोंचीं दुकां पुसलीं.

अम्मा... अम्मा... ताच्या पुस्पुस्या ताळ्याक तिणे दोळे धांपूनच्च हाळवायेन तकली हालयली.

अम्मा... तूं म्हाका जल्म दिल्ली आवय न्हय तरी, म्हाका मोग दिल्ली अम्मा. तुजें रगत-मास घेवन जल्मुंक नातल्ल्या म्हाका तुंवें इतलो मोग दिलाय तर... तुज्याच्च भुर्ग्यांचो तुंवें तुजो जीव दीवन मोग केलाय म्हळ्ळ्याक कोणेंय साक्स दिंवची गर्ज ना. तुज्या भुर्ग्यांक वाडवंक तुंवें जायते कषट सोसल्याय तरी, तुंवें कसलोय शीण उचारुंक ना.

अविनाशान यशोद अम्माचो हात आपल्या दोनी हातांनी घेतलो. तुका घडल्लें सर्व तुज्या कर्माचो फळ म्हणतात तीं खंय आसात अम्मा...? दुबळ्या कुटमांत चली जावन जल्मोंक तुवें विंचवण केल्लीय? मांय-बापान दाकयिल्ल्या चल्यालागीं लग्न जायनासतां रावुंक तुका विंचवण आसली? दुबळिकायेंत भुर्ग्यांक जल्म दीनासतां रावुंक विंचवण दिल्ली? जल्मल्ल्या भुर्ग्यांक मोग आनी जतन दिनासतां रावुंक सक्ती? घर्कार आनी तेगां भुर्गीं पाटापाट मर्णाक बली जातना जिवंत उरुंक साध्य जातें...? अविनाश सिंतिमेंताळ जाल्लो.

अम्मा, विंचवण करुंक तुका कसलोच्च आवकास नातल्यारी, तुज्या वांट्याक आयिल्लें तूं खुशेन जियेल्याय, राग करुंक ना, शिणुंक ना, कोणाकयी वायट मागुंक ना. तुजे मुकार आसल्ली जिणी हाच्याकी बरे रितीर जियेवंक साध्य नातल्लेबरी तूं जियेल्याय... अम्मा, तुज्या घर्काराक तुजो मोग भोगचें भाग मेळ्ळें. तुज्या भुर्ग्यांक तूं एक बेसांव जालीय अम्मा... तूं कोणाच्याय मर्णाक कारण बिल्कूल न्हय... घरकार अवघडान अंतरलो. नागू आर्थीक अडचणेनिमतीं, आशू आमालानिमतीं आनी परिमळ एकटोपीक गरबानिमतीं अंतरलीं. तुज्या कर्माचो फळ न्हय, अम्मा... अविनाश उलवनच्च वेतालो.

यशोद अम्माच्या निसतेज तोंडार विचित्र परजळ फांकल्लो. दोळे धांपूनच्च अविनाशाचो हात तिणे इतल्या बळान दांबलो की, अविनाश अजापलो. मोसतू वेळ तो तसोच्च बसल्लो...


दुस्रे दीस दफ्तरांत महत्वाचें मीटिंग आसल्ल्यान अविनाश त्येच सांजेर शेराक पाटीं पर्तालो. निदोंक वेतना, रात मध्यान जाल्ली.

...फांत्याच्या पांच वोरार मोबायल वाजतना, 'तें कोणाचें' म्हण चिंतुंक ताका त्रास जाले नांत.

अम्मा आमकां सोडन गेली अण्णा... रेणुकाचो कांपेरो ताळो आयकलो..

यशोद अम्माक सदांकाळ संसाराच्या 'कर्मांच्या' बांधांतलें सुटका दिल्ले तृप्तेन अविनाशान आपलो उज्वो हात हरद्यार दवरन दिगंताक दीषट उबारली.

---




## केनरा कोंकणी काजरांनी वोवियो

मिलाग्रीस कोलेजिचो प्रिन्सिपाल जावनासचा **मा|मायकल सांतुमायेर** हाणीं संशोद/अध्ययन केल्लें, ३५० रुपय मोलाचें, वोवियो, वेर्सांचेर अपूर्भायेचें गिन्यान आसून हजारांनी वोवियो तशेंच वेर्स आटापचें पुसतक.

वल्ली क्वाड्रसान लिपियंतर तशेंच संपादकपण करून गोंयच्या कोंकणगार प्रकाशन थावन तीन लिपिंनी प्रकाशीत केल्लें पुसतक.

**मोलाक घेवंक संपर्क:९८४५१६५३८२**

## वरांचें पुसतक (Livro de Horas)




पोर्चुगीस मूळः **मिगेल तोर्गा**
कोंकणीक तर्जणः **शैलेंद्र मेहता**

स्वताकूच फुडो करून हांगा,
हांव, एक पापी, जसो आसा तसो कुम्सार जातां.
हांव एक बरो मनीस आनी एक खलनायक
दोनूय आशिल्ल्याचें कबूल कर्तां
व्हड्याची जपासालदारकी घेवन
स्वता दिका सोदीत उफेतना.
घेतां सोपूत हांव
धर्मशासत्रांतले सदगूण म्हजेलागीं आशिल्ल्याचो,
जे आसात तीन,
आनी पापां मर्णाधीन.
जीं आसात सात,
नासत जाल्यार अदीक.

हांव जातां कुम्सार
म्हाका मेळिल्ल्या वरांचो स्वामी हांवूच
कुड्ड्या, खुनशी घायांचो,
नम्र, नितळ नाजूकसाणीचो.
निमाणे सगळेच
कुडके एका अखंडाचे.

कुम्सार जातां हांव एक तळें
आनी तळ्याक भरून उडवपी चान्नें, सगळेवटेन गुठलावन.
हांव एक धनुश्य
बाण सोडपी वयर.
आनी म्हजे प्रतिश्ठेसकयल.

हांव सगळेंच, हांव कुम्सार जातां
जें जल्मू येता म्हजेभीतर.
मूळां रिगयत जम्नींत
म्हजे सुवातेपरमाण.
हांव जातां कुम्सार, हांव आबेल आनी केन.

हांव जातां कुम्सार, हांव मनीस.
आनी एक शापीत देवदूत
सर्गांतलो, जंय देवाचें राज्य चल्ता अशें म्हणटात;
आनी हांव एक राकेस
जम्नीर पडिल्ले खोल वेरेंतल्यान तकली वयर काडपी.

हांव कुम्सार जातां, हांव हांवूच.
हांव हांवूच, सरळपणान आयलां
सांगचेपासतः " हो हांव,"
हांगा, म्हाकाच रुज्वात कर्तना.
***

O Outro Livro de Job (१९३६) हांतल्यान

---

## कथापाठ - दुसरी शिंकळ

कोंकणी कथेंचेर खोलायेन अध्ययन करुंक, समकाळीन साहित्यासमोर कोंकणिंत सयत गूणमट्टाचें साहित्य रचुंक दिशा दिंवच्या इराद्यान युवबरवपी तशेंच अध्ययन/संशोद कर्पिंक मजतगार जांवचेतसलें 'तुलनात्मक अभ्यास' Comparative Analysis' ह्या कथापाठांनी उपन्यासां आसतलीं. आशावादी प्रकाशन आनी उज्वाड पंद्राळें हांच्या मुकेलपणाखाल हें कथापाठ फेबरेरांत सुरू जातलें. चडतीव विवरांक राकून रावा.

# कथापाठ: कोंकणी कथेंचेर वेबिनारां

राश्ट्रीय मट्टाचें (कोंकणी कथेंचेर) अध्ययन कर्चें कामासाळ '**कथापाठ**', आशावादी प्रकाशनान २००४-५ इस्वेंत कुवेयटांत सुरू केल्लें मिसांव.

कोंकणी मात्र न्हय, राश्ट्रीय, अंतरराश्ट्रीय मट्टाच्या कथेंचेर हें अध्ययन पाटल्या सभार तेंपाथावन कुवेयटांत तशेंच मुंबंयत मांडून हाडलां. २०२० इस्वेंत उज्वाड पंद्राव्व्यासवें, कर्नाटक, गोंय कोलेजिच्या विध्यार्थिंक तशेंच उदेवन येंवच्या कथा अभिरूच आसच्यांक आसा केल्लें पांच वेबिनारांची शिंकळ २०२० इस्वेच्या ओक्तोबर २५ तारिकेर (आयतारा; सांजेर ४:३० थावन ६:०० पऱ्यांत) सुरू जावन दसेंबर २७ तारिकेर अखेर जालें. उज्वाड पत्राचे आधले संपादक, कथाकार मा|चेतन लोबोन उग्तावण करून कोंकणी कथेंक समकाळीन भाशेंसमोर गूणमट्ट चडंवच्या दिशेन असलीं कामासाळां उपकाराक पडतीत म्हळ्ळो संधेश दिलो.



**पयलें वेबिनार:** ओक्तोबर २५ तारिकेर आसून, शिकपाचो विशय आसलो: मटवी कथेच्या तांत्रिकतेचेर तशेंच वेग-वेगळ्या प्रकारांच्या कथेंचेर खोलायेचें अध्ययन. गोकूळदास प्रभू कोच्चीन आनी वल्ली क्वाड्रस मुंबय हाणीं उपन्यासां दिलीं. बाय स्मिता शेणय हिणें हें वेबिनार चलयलें, उज्वाड पंद्राव्व्याच्या संपादक मा|रोयसन फेर्नांडीस हाणीं धिन्वासलें.



**दुसरें वेबिनार**: नवेंबर ८ तारिकेर आसून, शिकपाचो विशय आसलो: कोंकणिंतल्या घाटाच्या कथेंचेर खोलायेचें अध्ययन. मा|चेतन कापुजीन आनी कन्सेपटा फेर्नांडीस आळव हाणीं उपन्यासां दिलीं. प्रेम मोरसान हें वेबिनार चलयलें, वीज ई-पत्राचो संपादक आसटीन प्रभून धिन्वासलें.



**तिसरें वेबिनार**: नवेंबर २२ तारिकेर आसून, शिकपाचो विशय आसलो: कोंकणिंतल्या मुंबयच्या कथेंचेर खोलायेचें अध्ययन. मा|जेसन पिंटो आनी योगिता वेर्णेकर हाणीं उपन्यासां दिलीं. दो|पूर्णानंद चारीन हें वेबिनार चलयलें, पयणारिचो सह-संपादक शैलेंद्र मेहतान धिन्वासलें.



**चोवतें वेबिनार**: दसेंबर ६ तारिकेर आसून, शिकपाचो विशय आसलो: कोंकणिंतल्या विदेशी/पर्गांवाच्या कथेंचेर खोलायेचें अध्ययन. कन्सेपटा फेर्नांडीस आळव विल्ली गोयेस हाणीं उपन्यासां दिलीं. सियालिनी फेर्नांडीस हिणें हें वेबिनार चलयलें, दल्गादो कोंकणी अकाडेमिचो अध्यक्ष बाब विन्सी क्वाड्रसान धिन्वासलें.



**पांचवें वेबिनार:** दसेंबर २७ तारिकेर आसून, शिकपाचो विशय आसलो: कोंकणिंतल्या ग्रामीण परिसराच्या कथेंचेर खोलायेचें अध्ययन. दो|प्रकाश पेरियंकर आनी वल्ली क्वाड्रस हाणीं उपन्यासां दिलीं. आतिशा सुरलेकर हिणें हें वेबिनार चलयलें, मा|रोयसन फेर्नांडिसान स्वागत उलवप केलें, वल्ली क्वाड्रसान धिन्वासलें.



स्मिता शेणय, प्रेम मोरस, दो|पूर्णानंद चारी, सियाली फेर्नांडीस, आतिशा सुरलेकर



मा|रोयसन फेर्नांडीस, दो|आसटीन प्रभू, शैलेंद्र मेहता, विन्सी क्वाड्रस

# लिपियंतर वावर

(लारेन्स वी बारबोजा – मँचेस्टर)

२०२० इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तेंत हुमेदिचें इनाम जोडलें लेक

**प्रस्तावना**

मनश्यान आपली गरज, आपली वळख, आनी भोगणां एकमेकांथांय वाटुंक केल्लो आवाज जावन आसा 'भास'. भास केन्नाउपजली हें कळीत ना, In the beginning was the word and the word was with God, and the word was God (Gospel of John १:१) , हाचे सारके सबार तर्क-वितर्क केल्ले दाखले सोडल्यार दुसरे कांयच खात्री आशिल्ले दाखले नात. पूण थोड्या अदमासान बरोंवची प्रक्रीया क्रिस्त पूर्व ३२००-३४०० इस्वेंत सुरू जाल्ली अशें कांय दाखले सांगतात तर, आनी थोडे दाखले क्रिस्त पूर्व ५०००-५५०० इस्वे इतले फाटीं वतात. भाशे वरवीं उलयल्ले, आयकल्ले, दाखल्या रुपान परिवर्तित  केल्ले संकेत, चित्रांवणी जावन आसा 'लिपी'.

भासो कितल्योय आसूं येतात पूण हर एके भाशेक लिपी आसाच म्हण ना. सुमार ७००० भासो आशिल्ल्या ह्या संवसारांत कितल्यो लिपी असात हें सांगप कठीण. हांगासर लिपी म्हव्यार वेवस्थीत रितीन बरोवंक उपयोग करपाचे संकेत. ह्या संवसारांत कितल्यो लिपी असात हें सांगप कठीण असलें तरी विंगड विंगड ७००० लिपी नात. म्हव्यार हऱ्येका भाशेक लिपी ना. एके लिपिंत साबार भासो आनी एक भास सबार लिपयांनी बरवं येत . देवनागरी लिपिंत हिंदी, मराठी, नेपाळी अनी कोंकणी भास बरयतात , आमची कोंकणी भास देवनागरी, कानडी, रोमी, मळयाळम आनी पार्सी-अरेबीक लिपिंत बरयतात. ह्या लेखनांत लिपी, लिपियंतर आनी कोंकणी भाशेंत साहित्याच्या लिपियंतर वावरा विशयांत  नदर घालपाचो यत्न केला.

लिपी, लिपियंतर आनी कोंकणी भास

एके भाशेची बरोंवची रीत वा लिपिचे साबार लाव असात, हांतूत मुखेल जावन आसात:

- भाशेची वाडावळ
- चिंतपाचे शक्तीची वाडावळ आनी पुनर्मोल(re-evaluation) करुंक संद.
- वेवस्थीत रीतीन तर्क-वितर्क माडुंन हाडुंक सहाय.
- संपर्क अनी संवादांत सहाय.
- दाखलो जावन सांबाळून दवरुंक आदार

David R Olson हाच्या 'writing' ह्या लेखनांत वेगवेगळे रीतिचे संकेत, लिपी आनी तांची चरित्रां वर्णन केल्यात. Gottfried Wilhelm Leibniz ह्या जर्मन तत्ववेत्त्यान सगळ्या संसाराच्या लोकाक भाशेचो अदार नासतना एके लिपिंत बांदचो यत्न केल्लो उल्लेख आसा. ह्या तत्ववेत्त्यान अशे एके लिपिची कल्पना करतना ; ही लिपी दूसऱ्या दूसऱ्या मांय भाशेच्या लोकांच्या भोगणांचें प्रतिबिंब (reflect) सागांता हाडुंक शकतलें म्हण चिंतलें!. उंचलें आनी खाशेलें चिंतप हें, पूण अशें जावंक ना!. आतां आमकां कळीत आसा, आमचें चिंतप आनी आमचीं भोगणां लिपीचेर न्हय पूण भाशेचेर पातयेवन आसता. संकेत वा सद्याच्या काळाचे इमोजी (Emoji) एका थराचो इशारो वा म्हायती दितात तेभायर चिंत्नां वा भोगणां हांचें संप्रेषण करिनात. लिपिच्या गुणांभितर असल्या संकेतांचो उल्लेख आसा आनी जांट्यांच्या अभिप्रायाप्रमाण असले संकेत एका शब्दाचो वा क्रियापदाचो (Verb ) अर्थ दीवंक सीमीत जावन आसात. संकेताबगर साबार थराची 'बरवची वेवस्था' आसा आनी हांचे दाखले सुलाभतायेन मेळटात, अशे लिपिच्या उदरगतींत अंतीम सुवात जावन आसा शब्दकोश आदारीत लिपी.

आमकां सगळ्यांक कळीत आसा तेप्रमाण कोंकणी भास मुखेल पांच लिपिंनी बरयतात.

- कानडी: पांचव्या शतमानांत 'कदंबा' लिपी थावन आरंभ जाल्ली ही लिपी सुमार १३०० इस्वेंत कानडी लिपी जाली.
- रोमी: सुमार क्रिस्त पूर्व सातव्या शतमानांत 'लातीन' लिपी फाटल्या अडेच हजार वर्सांनी विकसीत जाल्या आनी हांतलें विकासीत रूप जावन आसा रोमी लिपी.

- देवनागरी: क्रिस्त पूर्व तिसऱ्या शतमानांत 'ब्रहमी/ब्रह्मी' लिपी थावन उपजल्ली ही लिपी सुमार एक हजार वर्सां थावन सद्याच्या रूपांत आसा.
- मळयाळम: आता बरवपाची मळयाळम लिपी 'ग्रंथा' शब्दकोश अदारीत लिपी, सुमार आट वा णवव्या शतमानांत सावन आशिल्ली असो अदमास आसा.
- पार्सी-अरेबीक: क्रिस्त पूर्व पयल्ल्या आनी दूसऱ्या शतमानांत व्यापारांत पार्सी-अरेबीक(Origine-Nabataean ) लिपी आशिल्ली असो अदमास आसा, पूण ५१२ इस्वेंत हाचे शब्दकोश उपयोग केल्ल्याचे दाखले आसात.

विकिपिडियांत आनी अंतर-जाळाचेर वयर कळयिल्ल्या पांच लिपिंविशीं जाय ती म्हायती आसा.

www.usefulcharts.com हांचो विडियो पळेल्यार आमकां ग्रीक, लातीन, हिबरू आनी अरेबीक लिपी फनिसियान (Phoenician) मुळा थावन आयल्या अशें समजता आनी ह्याच फनिसियान मुळाथावन आयिल्ले अरामयेक लिपी थावन अरेबीक अनी दक्षीण अशियाच्यो लिपी उदेल्यो अशें समजता (Abugida writing system). अशे हे लिपिंचे चरित असक्तेचे पूण संकीर्ण आनी घुस्पागोंळांत घालपी.

साहित्याचे नदरेन 'भाशांतर' वावराविशीं वाचुंक मेळटा, पूण लिपियंतर वावरा विशी वाचुंक उणें मेळटा. कोंकणी भाशे परीच पंजाबी भास. भारतांतले पंजाबी गुरुमुखी लिपी आनी पाकिस्तानी पंजाबी समुकी वा अरेबीक लिपिंत बरयतात, तसेंच काश्मीरी भास शरदा, पार्सी-अरेबीक आनी देवनागरिंत बरयतात, पूण ह्या भाशांनी लिपियंतर वावर केल्लो दिसना. हिंदी आनी उर्दू दोन विंगड भासो, हिंदी देवनागरिंत बरयल्यार, उर्दू पार्सी-अरेबीक लिपिंत बरयतात. हिंदी जाणा आसल्यांक उर्दू उलयलें समजुंक त्रास जायनांत पूण उर्दू वाचचेखातीर अरेबीक लिपी जाणा आसुंक

जाय. यूवा कवयत्री, लता हयान हिंदी आनी उर्दुंत साहित्य रचलां, पूण लिपियंतर केल्लो दाखलो ना. लिपियंतर(Digraphia) एके भाशेचे उदरगतींत गरजेचें जावन आसा, हाचेवरवीं एक साहित्यिक चिंतप तेच भाशेच्या चड वाचप्यां थांय पावता. सादारण जीणेचो दाखलो पळयल्यार, आज संवसारभर पावल्लीं कोंकणी भुरगीं कोंकणी भास इल्ली तरी उलयतात पूण तांकां चड जावन वाचुंक येंवची लिपी रोमी. जर देवनागरी आनी कानडी लिपितलें साहित्य रोमींत लिपियंतर जाल्यार देवनागरी आनी कानडी लिपितलें साहित्य ह्या भुरग्यांक वाचुंक संद मेळटा.

पुर्तुगेजांनी धर्म प्रगट करुंक कोंकणी भास गोयांत छाप्या मध्यमांत हाडली. सतराव्या शेकड्यांत गोयां थावन स्थळांतर (पुर्तुगेजांचो धर्म प्रसार आनी मराठा आक्रमणां ही मुखेल कारणां ) जाल्या कोंकणी लोकांनी स्थळांतर जाल्या जाग्यांची लिपी कोंकणी भाशेंत वापरली. कर्नाटकाच्या भटकळ वाठारांतल्या मुसलिमांनी फार्सी-अरेबीक, ऊरल्ल्या कर्नाटकाच्या लोकांनी आमची कोंकणी भास कानडी लिपिंत छाप्या मध्यमांत हाडली. अट्राव्या शतमानांत रोमी आनी देवनागारिंत कोंकणी छापली तर,१९ आनी २० व्या शतमानांत मुंबय उपरांत मंगळुरा थावन कानडी लिपिंत कोंकणी छापली.

कोंकणींत कांय प्रमाणांत लिपियंतर वावर सुरु जाला ही समादानाची गजाल. अमर कोंकणी अंको-७२ हांतू एम. गोपाल गौड हाणें विस्तारान दिल्ले म्हायतीप्रमाण १९८० वर्सा सांत लुवीस कोलेज- मंगळूर हाणी कोंकणी संस्था स्थापन करतना कोंकणिच्या विंगड विंगड लिपिंनी प्रगट जाल्लें साहित्य लिपियंतर करून प्रगट करप हो हे संस्थेचो एक उद्देश जावन आशील्लो. संशोधीत साहित्य आशिल्लें 'अमर कोंकणी' षणमासीक १९८१ जानेवारींत कोंकणी संस्थेन कानडी आनी देवनागरी लिपिंत प्रगट केल्लें जें आयजमेरेन खळनासतना पर्गटून आसा. १९९७ मार्च म्हयन्यांत आरंभ केल्ली कोंकणी स्नातकोत्तर पदवी टपाल शिक्षण कानडी आनी देवनागरी लिपिंत आसा. डॉक्टर ऑस्टिन प्रभुचे 'वीज' हप्त्याळे कानडी, देवनागरी, मळयाळम आनी रोमी लिपिंत प्रगट जाता. www.kavitaa.com कानडी आनी देवनागरिंत आसा तर, www.poinnari.com कानडी, देवनागरी आनी रोमी लिपिंत प्रगट जाता. सबार मंगळुरच्या प्रकाशनांनी कानडी आनी देवनागरी लिपिंत साहित्य प्रगट केलां. www.kavitaa.com हाच्या publication विभागांत २००३ थावन २०२० मेरेन 'कविता ट्रसट' हाणी प्रगट केलेल्या बुकांचे वळेरेंत लिपिचो उल्लेख आसा, जातूंतल्यान साबार बूक कानडी आनी देवनागरी दोनय लिपिंनी प्रगट जाल्यात हें व्होलमता. कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडमीन असलोच वावर केला. पयलें कुवेयट आतां मुंबय मुळाच्या 'अशावादी प्रकाशनान' २००२ इस्वेथावन कानडी आनी देवनागरी लिपिंत पुस्तकां प्रगट केल्यांत. गोंयच्या 'कोंकणगार प्रकाशन' हांणी २०२० वर्साच्या मार्च महिन्यांत इंगलीश पुस्तकांचें कोंकणी तर्जण 'माडा थावन तेला खणी पऱ्यांत' तेचपरीन कविता जमो 'मयलाफातर' कानडी, देवनागरी आनी रोमी लिपिंत प्रगट केल्यांत. World Konkani Centre Mangalore हांचें 'KONKANVERTER' कंप्यूटर आदारीत साधन (Computer Tool) कानडी, देवनागरी, मळयाळम आनी रोमी लिपी मदीं उतरां लिपियंतर करुंक भोव उपेगाचें आसा. वेवस्थीत दाखल्यांचो अभाव आसा तरी मुंबय थावन जे.बी.मोरायस आनी जे.बी.सिकेर हाणीं लेगीत कोंकणी साहित्य कानडी आनी देवनागरी लिपिंत प्रगट केलां.

**अनुमान** (Conclusion)

कोंकणी भास चार राज्यांनी विस्तारून आसा आनी कांय चाळिसांवयर बोली/समुदायाचो लोक ती भास उलयता देखून समेस्त बोली/समुदायान वापरिल्लीं उतरां एक सारकीं नात. हें भाशेचे नदरेन जालें तर, आचार-विचार , रिती-रिवाजलेगीत एक सारके नात. धर्म सोडाच, भाशीक फेस्तां -सुवाळे लेगीत विंगड विंगड देखून हांगासर राश्ट्रीय वा जागतीक थराचेर कोंकणी एक भास म्हण मुखार येता तेन्ना समेस्त समुदाय/बोली हाणीं आपलें साहित्य अपल्या वर्तुळाभायर पाववंक तशेंच भायल्या वर्तुळांतलें कोंकणी साहित्य आपल्या वर्तुळांत हाडचे दिशेन लिपियंतर हो एक सांकव जाता. आनी कोंकणीक मुखार हाडचे नदरेन असले सांकव भोव गरजेचे.

- लिपियंतर वावर भाशेचे उदरगतींत आदार दिता, साहित्यांत विविधता दिता, अशें जाल्यान चड आनी चड वाचप्यांक भाशेवटेन हाडटा.

- छापपाचे दीस ल्हव ल्हव उणे जायत आसात. थोड्या वर्सांआदीं आशिल्लीं साबार पत्रां आयज नात. सगळें डिजिटल जावपाच्या ह्या दिसांनी लिपियंतर चिंतप अत्यंत पूरक जावन आशिल्लेवरी दिसता. एका डिजिटल पत्राच्या संपादाकाक कोंकणींतल्या खंयचेय एके लिपिंतले साहित्यकृतीचें लिपियंतर प्रगट केल्यार वाचप्यांक आनी संपादाकाक चड आनी चड साहित्य रचनामदल्यान विंचवणी करुंक संद मेळटा.

- एकाद्या साहित्यिकाचें साहित्य लिपिच्या परिघाभायर येवंक आदार जाता. (दाखल्याकः www.kavitaa.com कानडी आनी देवनागरिंत आसा तर, www.poinnari.com कानडी, देवनागरिंत आनी रोमी लिपिंत आसा), हें साहित्याचे मानक वाडवचे दिशेन गरजेचें .

- क्रिस्तपूर्व आठ ते बाराव्या शेकड्यांतलो असो अदमास आशिल्ल्या ग्रीक कवी होमर (Homer) हांची Homeric Epic Poems तोंडी सांगल्ली आनी हीं ती तोंडी आनी आयकुपाचे परंपरेंतल्यान दुसऱ्याक पासार जाली, जे परीनं आमच्यो होनव्यो प्रसारित जाल्यो. उपरांत ह्या लोक वेदाचें लिपी वरवीं मुद्रण केलें . आतांचो हो डिजिटल संवसार आमकां परतुन तेच स्थितीकडेन व्हरता काय? असो दुबाव येता. लिपियंतर वावरावरवीं चित्रावणी, नटन माध्यमांतल्यान सादर केल्लें साहित्य वाचुंक येंवच्या लिपिंत मेळपाचो लाव जाता.

- कोंकणी भाशेचे कांय उतरां प्रांतानुसार विंगड विंगड रीतीन उच्चार करतात (बोली) आनी कांय फावट, उतरांचो उच्चार बदलतना अर्थ आनी लिंग हांतूत फरक येता. लिपियंतर वावरा वरवींअसले विशय वा फरक समजोंक सोपे जातात, सोंप्या उतरांनी सांगचे तर शीक्षणीक कामाक लिपियंतर सांगात दिता.

-'एक लिपी एक भास' बरें चिंतप पूण आमची कोंकणी सारकी भास पांच लिपिनी बरयतना हें चिंतप कार्याक लावप कश्टांचे काम. देखून लिपियंतराची एक प्रक्रीया (Process) मांडून हाडची पडटली,वेगवेगळ्या वाठारांनी ती प्रक्रिया चालीक लागुंक जाय. हाका दुडू आनी वेळाची गरज असा!. हें एके व्यक्तिचे काम न्हय. हांगासर एके संस्थेच्या मुखेलपणाची गरज दिसता. सद्याचो काळ आनी फुडारांत डिजिटल मनांत दवरून हें चिंतप लिपियंतर वावरांक लागू करून आमचें साहित्य लिपियंतर केल्यार, भाशेचे पुराय उदरगतीक (Inclusive) चड फायदो जातलो हातूंत मातुय दुबाव ना.


**कोंकणी निरंतरी... पयणारी.**
कन्नड-नागरी-रोमी लिपिंनी कोंकणी साहित्य परगट करचो कोंकणिंतलो पयलो तशेंच एक मात्र जाळिजागो: www.poinnari.com


## कथामृत आशावादी प्रकाशनाच्या पांचव्या डिजिटल आडियो बुकाचें मोकळीक कार्यें





'यदाहं जीवमी, अहमाशंसे (जीव आसतासर भरवसतां)' ध्येयाखाल २०००-१ इस्वेंत कुवेयटांत सुर्वातून, येदोळ पासून कोंकणी साहित्याचे वेवेगळे ४७ बूक प्रकाशीत केल्या आशावादी प्रकाशनाचो पांचवो डिजिटल आडियो बूक 'कथामृत (क्लेरेन्स कैकंबच्यो डिजिटल काणियो)' मोकळीक कार्यें, अगोसत १५ तारिकेर सांजेर ७ वोरांचेर 'पयलें अंतरराश्ट्रीय डिजिटल कोंकणी' माध्यमाचेर चल्लें.

कार्याचे सूरवातेर जेराल येवकार मागून वल्ली क्वाड्रसान अगोसत १० तारिकेर अछानक रितीन अंतरल्ल्या कोंकणी बरवपी, आमचो युवक पत्राचो आधलो संपादक रोबर्ट फूर्टाडो सासतानाच्या अत्म्याक शांती लाभुंक एका मिनुटाचें मवन प्रार्थन केलें. कोंकणी सर्दार मानेसत बसती वामन शेणय हाणीं उग्तावण उलवपांत 'डिजिटल आमचो फुडार देकून बदलून वेच्या काळाक सरी जावन आमी सयत बदलून, आतांच्या युवजणांलागीं कोंकणी साहित्याक वर्चीं एक वाट आमी तयार करुंक जाय' म्हण उलो दिलो.




म्यांचेसटर (यू.के.) थावन लारेन्स वी. बारबोजान डिजिटल बुकांची मटवी वळोक करून २००५ इस्वेंत आशावादी प्रकाशनान डिजिटल रुपार परगट केल्या 'सागोराच्या वाटेच्यो झरी' पयल्या 'ई-बुकाची' , तशेंच हेर च्यार डिजिटल बुकांची माहेत दिली. २०१८ इस्वेच्या नवेंबर १६ तारिकेर 'कथादायज' नांवाच्या पयल्या डिजिटल आडियो बुकांत वल्ली क्वाड्रसाच्यो २३ मटव्यो काणियो, '**सूर्यो उदेता**' नांवाच्या दूसऱ्या डिजिटल आडियो बुकांत राश्ट्रीय मट्टाच्या २७ काणियेगारांच्यो मटव्यो काणियो, '**मायानगरी**' नांवाच्या तीसऱ्या डीजिटल आडियो बुकांत वल्ली क्वाड्रसाच्यो मुंबयच्यो काणियो, '**सूर्यो उदेला**' नांवाच्या चोवत्या डिजिटल आडियो बुकांत राश्ट्रीय मट्टाच्या २५ काणियेगारांच्यो मटव्यो काणियो आनी '**कथामृत**' नांवाच्या पांचव्या डिजिटल आडियो बुकांत क्लेरेन्स कैकंबच्यो २० मटव्यो काणियो आसात.

'**कथाझर**' नांवाच्या सव्या डिजिटल आडियो बुकाक वेगिंच प्रसारीत कर्ची तयाराय चलून आसा म्हणालो.




प्रेम मोरासान प्रमूक उलवप्यांची; केरळ थावन गोकूलदास प्रभू, मंगळूर थावन दो|एडवर्ड एल. नज्रेत, उडपी थावन मा|चेतन कापुचीन, तशेंच गोंय थावन दो|प्रकाश पेर्यंकर (गोंय युनिवर्सिटिच्या कोंकणी विभागाचो मुखेसत) वळोक करून दिली. गोकूलदास प्रभून 'ई-बुकांनी सयत आसली वाचपाची बंदड डिजिटल आडियो बुकांनी ना, डिजिटल आडियो बूक आयकुंची एक सलीस कला आयकुवप्यांक काणी बरी करून समजुंक कुमोक कर्ता देकून काणी सादरकर्पिंनी सब्धांचो जोक्तो उच्छार कर्ची गरज आसा जाल्ल्यान त्या त्या प्रांत्याच्या काणियांक सादर करुंक त्या त्या बोलिंच्या सादर कर्पिंनी केल्यार बरें. कोंकणीक आतांच्या युवजणांलागीं वरुंक डिजिटल आडियो एक उत्तीम माध्यम' म्हणालो. दो|एडवर्ड नज्रेतान कशें आयच्या काळार सरव भासेंनी वाचप्यांचो संको उणो जावन आयला, आनी प्रिंट माध्यम असकत जावन वेच्या काळार डिजिटल माध्यम एक प्रमूक विकल्प जावन उभें जावन आसा. आनी डिजिटल माध्यमांनी आज कोंकणीक 'गलफाच्या जिविताच्यो काणियो', 'मुंबय जिविताच्यो काणियो' आयकुंक मेळतात जाल्ल्यान आमकां आमची समजुणी विसतार करुंक एक वाट उभी जाता' म्हणालो. मा|चेतन लोबोन जेदनां डिजिटल माध्यमाचेर कोंकणी काणियो प्रसारीत जावंक लागल्यो तवळ थावन चडताव हर्येक काणी आयकून ताचें अस्वादन केल्या. आयच्या काळार दृश्य माध्यमाक चडीत खायस आसा, पूण काणी एक वेगळो प्रकार जाल्ल्यान डिजिटल आडियो बुकारुपार कोंकणी काणियो चडीत लोकांक कोंकणिलागीं हाडच्यांत मजतगार जातलो' म्हणालो. दो|प्रकाश पेर्यंकरान 'कोंकणी वेवेगळ्या लिपिंनी वांटून गेलां जाल्ल्यान लिपिच्या बंदडेक लागून कोंकणिच्या सर्व लिपिंनी आसचें कोंकणी साहित्य आमकां वाचुंक तशेंच तांचेर अध्ययन करुंक आसच्यो वाटो उण्यो. पूण डिजिटल आडियो बूक ह्या दिशेन भोव महत्वाचें. डिजिटल आडियो बुकांत लिपिचो समस्सो ना देकून हेर लिपिंनी बरयिल्ल्यो उत्तीम काणियो आमकां आयकुंक, समजुंक सलीस जाल्ल्यान साहित्य शिकप्यांक राष्ट्रीय स्थराच्या कोंकणी साहित्याचो अभ्यास करुंक एक अपुर्भायेची संधी.' म्हणालो.

KATHAMRITH (Konkani Short Stories of Clarence Kaikamba)




Digital Book 5: KATHAMRITH (*Konkani Short Stories of Clarence Kaikamba*)
*Digital Konkani Audio Book of Ashawadi Prakashan*

प्रेम मोरासान क्लेरेन्स कैकंबाची मटवी वळोक करून दितच, वल्ली क्वाड्रसान वीस काणियांक सादर केल्ल्या वीस सादरकर्पिंची वळोक करून दितच, मानेसतीण जेन ऐडा पिंटोन 'कथामृत' डिजिटल आडियो बुकाक डिजिटल मोकळीक कर्तच, क्लेरेन्स कैकंबान अपलीं भगणां उचार्न, चाळीस वर्सां थावन काणियो बरवन आयल्यारी जावंक नातलो अनभोग आतां डीजिटल आडियो बुकांत प्रसारीत जाल्ल्या एका काणियेंत जाल्लो संतोस उचारून, ह्या डिजिटल बुकाक तयार करुंक मिनत केल्ल्या सर्वांचो उपकार बावुडलो.

अमेरिकाथावन दो|आसटीन डी' सोज प्रभून अपल्या उलवपांक 'पयलें अंतरराश्ट्रीय कोंकणी कार्यें चलंवची सूर्वात करून देशाच्या वेवेगळ्या देशांतल्या कोंकणी लोकांक सांगाता मेळुंक आवकास करून दिल्ल्या आशावादी प्रकाशनाचो उपकार बावुडलो' . कोन्सेपटा फेर्नांडीस आळवन 'डिजिटल बुकांक शिक्षण (Academic) संस्थ्यांनी गळसून हाचो बरो फायदो जोडचे गर्जेविशीं उलयली. केनडा थावन जेरी डी' मेल्लो बेंदूर हाणें 'डिजिटल माध्यमांत कोंकणी काणियां मुखांत्र आमी चडीत कोंकणी लोकांलागीं वचुंक एक बरी सूर्वात करून दिता' म्हणालो.

हें कार्यें मांडून हाडल्ल्या वल्ली क्वाड्रसान उपकार आटवणी केली.

## वृद्धाश्रम (नामदेव ग. सुरलेकार)

२०२० इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तेंत दुसरें इनाम जोडलली कविता





दीस सरले म्हयने सरले
वर्स फाटल्यान वर्सां गेलीं
दोळ्यांतलें तेज मंदावलें
कुडीतलें त्राण कमी जाले
चेऱ्यावेल्यो मिरयो...
दिसान दीस चेह्र्याक
विद्रूप करीत आसा

आनी यादी!
त्यो तर एक एक करून
यादिंच्या पेटुलांतल्यान
शेणत आसा

तुजी याद मात हांवें काळजांत
सारकी सांबाळून दवरला
तूं जोडटा तांतूंतलो वांटो
म्हाका धाडून दिता

हांव जेवता पूण..
तुमचे बगर जेवण रूचना
दीस सरता कसो तरी
झाडां पेडाकडें उलोवन
पूण रात जातकच
सगळो काळोख एकटांय जावन
बसतात मानगुटेर

कोणाकडेन उलोवंक मेळना
कोणांक कांय सांगूंक मेळना
जीणेचे व्ययेची दुकां
घोटीत जियेतां तुज्यां यादीनी
येतलो म्हूण तूं
म्हाका व्हरूंक आपले सरीं
आवय म्हूण मायेन
उलो मारून एकदां तरी

म्हाका करची आसा
तुमची सेवा
धुंवचीं आसा पुसचीं आसा
तुज्यां भुरग्यांची उश्टीं तोंडा

जाणां व्हय तूं
हें उतर कितलें मायेस्त
हें नांव जे अस्तुरेक
आयकूंक मेळ्ळ्टा
ती अस्तुरी भाग्यवान
पूण म्हज्या नशिबाचे पाट्येचेर
तें भाग्य असून नासून सारकेंच
तुका देख दिवपाक हांव
खंयच कमी पडूंक ना
हाची म्हाका खात्री आसा
आनी तुजो सांबाळ करतना
केन्ना कांयच
कमी पडूंक दिलें ना
तरी पूण हांव म्हाणटां
म्हजें खंय तरी चुकले

हांगा म्हजो जीव घुस्मट्टा
यो पुता यो
मायेन आनी आपुल्केन म्हाका
तुजे सरी घेवन चल

ना तर...
वृद्धाश्रमांत तरी दवर
मनशां मदीं रावन
मनशां मदल्यान वचपाची
म्हाजी ईत्स पूरी कर.

## हारसो (मनोज नरेंद्र कामत)

२०२० इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज राश्ट्रीय मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तींत तिसरें इनाम जोडलली कविता





म्हजो मुखामळ
म्हाकाच दाखोवपी
हो हारसो

म्हजे कुडीची
जाणविकाय
म्हाकाच करून दिवपी
म्हजी सुरुपाय
म्हजेच खातीर सोबोवपी
ओंठार खोस पर्जळावपी
हो हारसो

हांव लिपयतां ताका
म्हज्या मनांतल्यो भावना
मनांभितरल्ली घुस्पल्लीं कुवाडीं
नात्यांच्यो नसुटपी गाठी
करुणेचे अंतरनाद

दोळ्याचे खोल - खोलांयेंत व्हांवपी
दुकांचे वझरे
भायल्याचाराच्या मेकपान
ताका कळनां
म्हज्या मनांत चलपी
विचारांचो कल्लोळ

हांव हांसता
तेन्नाच तो हांसून दाखयता !
म्हाका पळोवन
हो हांसो अडेचोय आसता
जायते फावटी

तशें जाल्यार
हांव म्हाकाच फटयतां
खूब वेळा
भावनांक वाट करून दिनासतना
जिरोवन त्यो
मनाचे खोल खणींत
आनी वयल्यान माती ओडून
विसरायेर घालतां
हे खीण
दुखेस्त, मन तोडपी
काळजाक पाजर फुटोवपी

जर ह्यो
लिपिल्ल्यो भावना
हारशाक कळत जाल्यार ?
हांव भियेतां
ताका फुटाळ वचून
कुडक्यान कुडके जावन
तो खळखळून
सकयल पडत म्हूण !

घडये
हारशाच्याय फाटल्यान
एक वेगळो संवसार आसुये
जाची वळख
आयजलेगीत म्हाका घडूंक ना
तांणेंय आपले मनाचे खोलायेंत
दूख लिपयल्लें आसत

तें म्हाका कळ्ळ्यार
हांव विरूस जावन
दुखाचे सायेंत शेणत म्हूण
तोवूय म्हाका दाखयता आसत
आपलें फटकिरें रूप
म्हाका फुटाळ वचपाच्या भंयान !

# TLC PU COLLEGE

(PCMB, PCMS, PCMCs, PCME)

a division of

CFAL

**JOIN NOW**

NEET | JEE (Main & Adv.) | CET | KVPY | NTSE | OLYMPIADS

7026314999
9900520233

www.cfalindia.com